

मे १९८५



Help Institute of Public Assistance
(Provedoria) to
help individuals, families in need,
poor students and victims
of natural calamities or
serious ill health or
physically handicapped persons.

BUY A PROVEDORIA'S WEEKLY/MINI LOTTERY TICKET
every week, Provedoria's Funds are
used for citizens Welfare.

कुळागर

| १९८५

र्स : सातवें

ंक : ५

ह्या अंकाचे मोल : ३ रुपया

र्सुकी पटी : २५ रुपया

ंपादक :

प्रकाश थळी

नारायण वादोळकार

जायरात विभाग प्रमुख :

अनिल पै

छापणावळ :

एस. जे. हुंद्रे

रवि मुद्रणालय, कडोलकर गल्ली,

बेळगांव. फोन : २३०७९

छापपी आनी उजवाडावपी :

चंद्रकांत केणी

कुळागर प्रकाशन,

पो. बॉ. नं ७८

मडगांव–गोंय–४०३६०१

मांडावळ

ह्या अकांत परगटायल्लीं मतां त्या त्या बरोवप्यांलीं हातूतले, बरपावळीचो उपेग करचो जाल्यार बरोवप्याची लेखी मान्यताय घेवप गरजेचें.

अ. भा. कोंकणी लेखक संमेलनाच्या निमित्य

गोंयांत अखिल भारतीय कोंकणी लेखक संमेलनाचें अधिवेशन भरता त्या अदमासाक हो अंक आमी उजवाडायतात.

लेखक संमेलनाच्या निमित्यान वेगळचा वेगळचा प्रदेशांतले आनी विंगड विंगड लिपींतल्यान बरयतले कोंकणी लेखक अेकठांय येतले. सामान्यतायेन असल्या संमेलनांनी जमिल्ले लेखक अेकामेकांची तुस्त–तोखणाय करून आनी कोंकणी साहित्याची खूबच उदरगत जाल्या अशा समाधानान तृप्त जावन घरा परततात. अेका थारिल्ल्या सांच्यांतलीं उलोवपां जातात आनी कोंकणी साहित्याचो तोच पोरणो इतिहास, थोडींभोव उतरां बदलून, नव्यान सांगतात. कोंकणीक आतां बरे दीस आयल्यात आनी हे भाशेचो फुडार उजळ आसा अशी ते गवाय दितात. आजवेर पास करीत आयल्यात तसले थाराव संमेलनांत येतात आनी तांचेर बरी चर्चा जाता. पुण थाराव घेतल्या उपरांत आपलें काम सोंपलें अशें आमचे लेखक मानतात. हें अशें आजवेर चलत आयलां.

पयस परंतराकसावन वेगळचा वेगळचा भागांतले लेखक अेकठांय आयले तरी तांचो आपलेमदीं संवाद असो जायना. लेखकांची मनां भाशणांतल्यानच उक्तीं जातात अशें म्हण्टलो जाल्यार भाशण हे चार लोकांच्या सामकार करपाचें आशिल्ल्यान आमच्यांतलीं उणीं–दुणीं, धोंगां–खिणां लिपोवन गुणांची तोखणाय चड जाता. खरें म्हळचार असल्या संमेलनांनी कोंकणी साहित्याची क्ष-किरण चिकित्सा जावंक जाय. आनी अेकेफावटी चिकित्सा जाली म्हणटकच मागीर जें दुखणें आसत ताजेर उपाय जावंक जा[illegible] संमेलनात ते नदरेन व्यवस्था जावची अशी[illegible] सुचोवणी आसा.

कोंकणी साहित्याफुडलो खरेलो प्रस्न म्हळ[illegible] आनी प्रदेशांच्यो वण्टी मोडून साहित्यिक अेकचा[illegible] हाडपाचो. आमकां विंगड विंगड शैलींविशीं पुर[illegible] दिसता आनी त्यो जतनायेन सांबाळूंक जाय अ[illegible] मानतात. पुण कोंकणी साहित्य मंदाकिनीचो प्रव[illegible] दिकेन व्हावंक जाय आनी भाशेच्या वेगळेपणाच्यो,[illegible] भेदाच्यो ल्हान ल्हान न्हंयों आसात त्यो खंयर्त[illegible] प्रवाहाकडेन अेकरूप जावंक जाय. आज अशें घ[illegible] प्रवाहाचे गोंयांत दोन फांटे जशे समांतर चल[illegible] भाशेन कर्नाटक, केरळ आनी महाराष्ट्रांतले [illegible] फांटयांपसून अंतर राखून व्हांवतात. परिणाम अ[illegible] कि कोंकणीचो प्रवाह खोल आनी रुंद जावंकचा[illegible] ताजी गति वाडना. ह्या प्रस्नाचेर लेखक संमेलनां[illegible] जावंकच जाय.

कोंकणींत कितें आसा हें आमी जाणात. ता[illegible] अभिमान आमी बाळगुंचो न्हय. जें कितें ना तें [illegible] पिरगून वा निर्शेवन वचचें न्हय. इतिहास हो [illegible] वा वायट आसूं, तो बदलप आमच्या हातांत नास[illegible] बरो फुडार घडोवप मात दुबावाविरयत आमच्य[illegible] उरता. वर्तमानकाळांत आमी जें कितें करूं ताजेरच[illegible] फुडार आदारिल्लो उरतलो. अेक जंतिवंत फुडार घड[illegible] कालबद्ध वावर ह्या लेखक संमेलनान थारायलो[illegible] तें संमेलन फळादीक जालें अशें आमी म्हणूं.

कसलें साहित्य ? कसलें साहित्यकार ?

– रवीन्द्र केळेकार

Tलीं कितेंय छापून येता आनी कोणूय बरयता. प्रस्न ह्यांतल्या खंयच्या बरपाक साहित्य मानचें आनी कोणाक ार लेखचो ? छापून येता तितल्याकूय साहित्य मानलें साहित्याचेर अन्याय जातलो आनी बरयतात तितल्यांकूय ार लेखले जाल्यार साहित्यकारांचो अपमान जातलो.

चो अर्थ हालीं छापून येता ताका कांयच मोल ना असो ल्या बरपाची साहित्याक कांयच गरज ना असोय न्हय. वी–तट्टटीत अुरपा खातीर सगळेच तरेच्या साहित्याची गरज आसा. जाका आमी 'रद्दी' साहित्य लेखतात ताची ताका लेगीत मोल आसा. पांच पयशे, धा पयशे, रुपया, धा ूय जाल्यार मोलूच. पुणून पोवनाचें मोल वेगळें. पोवनाच्या साहित्यूच साहित्याक व्हडपण जोडून दिता. आमकां ा मोलाचें साहित्य खंयचें आनी पांच पयशांचें, धा पयशांचें वळखूंक येवंक जाय.

ूब जाणांक तें वळखूंक येना.

ांय जाण कोणे कितलीं पुस्तकां बरयलीं हें पळेतात आनी े संख्येवेल्यान कोण व्हड साहित्यकार आनी कोण ल्हान यतात.

हांव जाका फाटल्या तीस पस्तीस वरसां पसून मराठींतलो ड साहित्यकार म्हुण मानीत आयिल्लों ताचे विशीं पयर एक टीका आयकली–

'यांनी मराठींत काय अन् कितीसं लिहिलेलं आहे. म्हणून विषयक सरकारी बीन–सरकारी साऱ्या समित्यांवर ते ी वर्णी लावून घेतात ?'

ही टीका आयकून म्हाका बरेंय दिसलें आनी समाधानूय म्हळें, 'हे मराठी साहित्यकार आमच्या कोंकणी साहित्यकारां-डशे व्हड न्हय. आमचे येदेच गिड्डे हे, वा म्हणुया, आमचे नव-साक्षर. साहित्याचें आनी साहित्यकाराचें मोल कशें हें आमकां समजना तशें हांकांय समजना.'

मागीर हांव चिंतूंक लागलों. म्हळें, मराठींत वरसान वर्स ांनी पुस्तकां अुजवाडा येतात. फाटल्या शंभर वरसांत हे जीं हजारांनी पुस्तकां मराठींत आयलीं तांतलीं बऱ्यांतलीं शीं, धरूंया, शंबरूच पुस्तकां वेंचून काडचीं अशें थारायलें. , खंयच्या खंयच्या पुस्तकाचो हे वळेरेंत आसपाव जातलो ?

म्हज्या दोळ्यामुखार सट्ट करून अेक पुस्तक अुबें रावलें : दिवाकरालें 'नाटयछटा'

दिवाकरान ह्या पुस्तका भायर मराठींत आनी– कितेंय बरयल्लें आसत, म्हाका दिसना. निदान हांवें आयकूंक ना.

म्हळें, फाटल्या शंबर वरसांतल्या शंबर वेंचीक पुस्तकांत दिवाकराल्या 'नाटयछटां'चो आसपाव जाता. (जाले बगर रावचो ना.) पुणून शंबर सवायशीं पुस्तकां बरयल्ल्या ना. सी. फडक्यांच्या अेका तरी पुस्तकाचो जायत व्हय ? खातरी ना.

अेकल्यान अेकूच पुस्तक बरयलें म्हुण तो ल्हान जायना आनी दुसऱ्यान शंबर पुस्तकां बरयलीं म्हुण तो व्हड थरना. पुस्तकांचे संख्येक साहित्य म्हत्त्व दिना. बरें आसा. पुस्तकांच्या आकाराक तरीं दिता व्हय ? शंबर पानांचें पुस्तक बरोवपी साहित्यकार ल्हान आनी पांचशें पानांचें बरयता तो व्हड– अशें मानता व्हय ?

अवचित् दोळ्यां मुखार 'अीशोपनिषद' येवन अुबें रावलें.

फकत अठरा श्लोकांचे अेक अपनिषद हें छापयाक दिलें जाल्यार तीन पानांत आसपावतलें. चवथें पान कोरेंच अुरतलें.

असल्या पुस्तकाक पुस्तक तरी कशें म्हणचें ?

पुणून ह्या पुस्तकात हजारांनी पानांचीं भाष्यां बरोवपाक लोकांक प्रेरणा दिल्या. अजुनूय दिता. हिन्दुधर्माचीं सगळीं पुस्तकां फाल्यां, धरूंया, कोणेय हुलपावन अुडयलीं. फकत अेक अीशोपनिषद वाटावलें. जाल्यार, तांच्या ह्या अठरा श्लोकांचेर आधारून पुराय हिन्दूधर्म नव्यान रचून काडूं येत. येदो म्हयमा ह्या 'पत्रका' येद्या पुस्तकाचो.

भगवद्गीता तरी केदी ? शंबर पानांच्या 'चोपडया' येदी तरी ? पुणून देशी-विदेशी सगळें साहित्य तागडेच्या अेका दाल्यांत घालांत. आनी दुसऱ्या दाल्यांत भगवद्गीता घालात. गीतेचेंच दालें जड जातलें.

साहित्याचें मळ संवसारभर सदां वयल्या लोकांच्याच हातांत अुल्लें. आमच्या देशांत ब्राह्मणांच्या. ब्राह्मणांनी धर्मशास्त्रां रचलीं हें, म्हण, समजू येता. पुणून तांणी राज्यशास्त्रूय रचलें. युध्दशास्त्रूय तांणीच रचलें. राजान राज्य कशें करचें, झूज खंयच्या नेमाक धरून करचें, हें तांणीच थारायलें.

आमच्या देशांत क्षत्रियांचीं शास्त्रां क्षत्रियांनी न्हय, तर ब्राह्मणांनी रचल्यांत.

साहित्याच्या आनी संस्कृतिच्या मळ ची ' मक्तेदारी ' सदां ब्राह्मणांचीच आशिल्ली.

तरी आसतना वाल्मीकी आनी व्यास ह्या देशांत वयर सल्ले ! कशे ? दोनां भितल्लो अेकलोय ब्राह्मण न्हय. अेकलो जातीन कोळी. जाल्यार दुसरो खारवी. तांचे मुस्तींत साहित्याच्या मळार ब्राह्मणूच शेक चलयताले. पुणून अेकलोय ब्राह्मण हांकां चड्डूंक पावलो ना. अुबेखूंक पावलो ना. फाटीं अुडोवंक पावलो ना.

ब्राह्मणांनी, धरूंया, थारायल्लें: आमी ब्राह्मण सोडून दुसऱ्या कोणाक ह्या मळार पावल दवरूंक दिवचे नात. जाल्यार, वाल्मीकी आनी व्यास वयर सरचेच नाशिल्ले ? अशें म्हणूं नज.

' सर्व्हायव्हल ऑफ द फिटेस्ट ' हो न्याय जीवसृष्टींत घडये चलत, घडये ना चलत. साहित्याचे सृष्टींत तो अत्यंत कठोरपणान चलता. जो ' फिटेस्ट ' तोच साहित्यांत ' सर्व्हायव्ह ' जाता. कोणूय केदीय ' कंपुशाही ' करूं जो ' फिटेस्ट ' तो साहित्यांत केन्ना फाटीं पडना. खंयच पडूंक ना. आनी कोणेय कोणाक कितलोय माथ्यार घेवं, जो ' फीट ' न्हय तो साहित्यांत केन्नाच वयर सरूंक पावूंक ना. खंयच सरूंक ना.

साहित्यांत अशेंच सदां चलत आयला. अशेंच चलूंक जाय. गुणांनीच मनीस वयर सरूंक जाय. जाका ' प्रोत्साहना ' चे कुबडे बगर चलुंकूच येना ताका सुशेगाद ' मरूंक ' दिवंक जाय.

वाल्मीकी व्यास, म्हण खूब व्हडले. तांच्या पांयांपोंदच्या धुल्लाच्या कणाची लेगीत सर आमकां कोणाक येवपाची ना. आमी आमच्याय संवसारांतल्या साहित्यकारांकडेन पळोवया—

पुंडलीक, शिला, रमेश, प्रकाश हांकां कोणे माथ्यार घेतिल्ले म्हुण हे वयर सल्ले. सगळ्यांनी धरूंया, ' कंपुशाही ' करून ' हांकां आमी वयर सरूंक दिवचेच नात,' अशें थारायल्लें. जाल्यार, ते 'फाटीं पडटले' आशिल्ले ?

अेक गजाल घट्ट मतींत धरिल्ली बरी—

साहित्याच्या मळार कोण कोणाक वयर काडिना. कोण कोणाक सकल अुडोवंक पावना. जण अेकलो आपुणूच आपल्या गुणांनी साहित्यांत आपली सुवात वेंचून काडटा आनी थंय तो आपल्याच अधिकारान बचून बसता. थंयचो ताका कोण्ण् हालोवंक पावना.

कोणे म्हळळें, सारको अुगडास जायना. पुणून अेका विचार-वंतान म्हळळें : साहित्याच्या मळार जे कोण आपली सुवात निश्चित करून रावल्यात ते जल्मान खंयचेय जातिचे आसूं, ' गुणकर्म ' च्या नेमान ते सगळे ' ब्राह्मण. '

अेक खरें : ह्या ब्राह्मणां भितर चार जाती आसात—

शुद्र ब्राम्हणांची अेक : दुसऱ्यांक जाय तें बरोवन दितात तांची. वैश्य ब्राम्हणांची दुसरी : पयशां खातीर बरयतात तांची. क्षत्रिय ब्राम्हणांची तिसरी : समाज जाग्यार हाडपा खातीर परंपरे-आड, रूढींआड, समाजाच्या कुसक्या, नष्टचा, पाडचा आंगां आड लिखणेची तरसाद करून झुजतात तांची. आनी चवथी, ब्राह्म-णांचीं : बरयले बगर रावं नज अशें दिसता तेन्नाच— आनी ... जाय तेंच— बरयतात तांची.

हांच्यांत अूंच, म्हज्या कोंतान क्षत्रिय–ब्राह्मण ... पांवडचार ब्राह्मण–ब्राह्मण.

अुरिल्ल्यो दोनूय जाती ' अुणाक ' ब्राह्मणांच्यो.

आमच्यांत ह्या जातिभेदा भायर दुसरो भेद आसूं न... पावना. जे जल्माचे जातिकूच जात लेखून तिच्या भांडवल... त्यांत सुवात जोडूंक सोदतात ते ' आमचे ' न्हय. जल्मा... बामण आसूं वा आनी कोणूय आसूं.

कोंकणीच्या मळार जाल्यार आमी आतां अेक ... चलोवंया म्हणटां—

आमची भास कोंकणी. तशी आमची जात कोंकणी. आमचो धर्मूय कोंकणी.

जल्मान आमी खंयचेय जातिचे वा खंयच्याय धरमा... रगताच्या नात्यांतल्या लोकां परसूय आमचें नातें दाट आ...

वाल्मीकी पासून रवीन्द्रनाथा मेरेन जी सांस्कृति... ह्या देशांत चलत आयल्या तिचेच आमी वारस.

हो जालो साहित्याचो वस्तुनिष्ठ Objective ... संवसारांतल्या सगळ्या साहित्याक जे नेम लागू जातात ते... कोंकणी साहित्याकूय लागू जातात. पुणून कोंकणी सा... हांव पळेतां तेन्ना आनी–अेके नदरेनूय पळेतां.

ही आत्मनिष्ठ नदर Subjective.

धरूंया. फाल्यां आमकां कोणूय म्हणपाक लागो... कोंकणीक ' भास ' मानिना. मराठिची अेक सुंदर ' बोली ... हांव कोंकणींत बरयतलों. पुणून तिका ' बोली ' मानून ...

जाल्यार, ह्या मनशाक आमी ' आमचो ' लेखतले न्हय...

बाकिच्यांचें हांव नकळ. हांव ताका ' आमचो ' ले... तो आपल्या गुणांनी साहित्यांत आपली सुवात वेंचून ... ताका ' आमचे ' पंगतीक बसोवचों ना— मागीर, तो आम... कितलेंय बरें साहित्य बरोवं वा आमच्या साहित्यांत त... मोलाची भर घालूं.

म्हाका तो सदांच ' भायले जाति'चो दिसतलो.

आनी हांव ताका सदांच वेगळे पंगतीक बसयतलों.

कित्याक, आमची चळवळ निखटी साहित्यिक चळव... साहित्य हें तिचें अेक आंग. म्हत्त्वाचें खरें. पुणून तिग... आंगां परस चड म्हत्त्वाचें न्हय.

आमचे चळवळिची मुदल भूमिका कितें ?

आमी गोंयकार. पंजाबी, बंगाली, महाराष्ट्रीय, ... लोकां भाशेन आपणाली एक खाशेली अस्मिताय ... भारतीय. पंजाबी, बंगाली, महाराष्ट्रीय, गुजराती लोका... आपापलें भाषिक राज्य मेळ्ळां तशें आमकांय आमचें राज्य ... जाय आनी तें आमका धनीपणान चलोवपाची सूट आसूंक...

ली, तशें मोटया मोटयान सांगपी आनी त्या खातीर
न करून झुजपी चळवळ ही आमची.

मचे हे भूमिके आड जो येता तो केदोय व्हड साहित्यकार
'आमचो' न्हय. अशें स्पष्ट मत्त म्हजें.

कबूल करतां : हो वस्तुनिष्ठ विचार न्हय. पुणून वस्तु-
वार हेंच विचाराचें म्हत्त्वाचें आंग न्हय.

नांव घेना. नांवा बदला फुलयो घालून म्हजें मत्त
तां.

मचो कवी XXX XXX घेवंया. कोंकणींतलो हो अेक
कवी. जायत्या कवीं परस अुजवो ताच्या काव्याचो
गळचांनी पोटभर तूस्त केल्या. हांवें जाल्यार तागेल्या
अेक पुस्तकूय छापलां. (तागेली पयली कोंकणी कविता
पिल्ली.) देवान तांक दिली जाल्यार तागेलीं दुसरींय
वूच छापतलों म्हणटां. अितलेंय आसून हांव म्हणटां : हो
' न्हय. हो मराठीवादी. कोंकणीक तिची बोली मानपी.
ता आसलो (म्हाका खबर ना) जाल्यारूय विलीनी-
. गोंय महाराष्ट्रांत घालूंक जाय अशें म्हणपी.

चीं पुस्तकां हांव छापतां म्हुण फाल्यां, धरूंया, ताका
आमचे खंयचेच संस्थेचो पदाधिकारी करपाक भायर सल्लो
हांव ताचो प्राणपणान विरोध करतलों. ताका आमच्या
संमेलनाचो, परिषदेचो अध्यक्ष, अुपाध्यक्ष, स्वागताध्यक्ष,
जावंक दिवचों ना ताका आमच्यांतल्या ल्हानांतल्या ल्हान
गतीक लेगीत बसूंक दिवचों ना.

हजें चूकतलें ?

य म्हणशात जाल्यार हांव म्हणटलों : तुमचें साहित्य तुमकांच
जावं. हांव तुमचे कडेन संबंद दवरचों ना. तुमी कोंकणिचो
च्या साहित्याचो घात मारतले.

नी घडये हांव तुमच्याय आड झुजपाक फुरफुरून येतलों.

हजे हे भूमिकेक 'अतिताये'ची extremist म्हणूं येता.
कोंकणी विशिंचे म्हजे निष्ठेंतल्यान आयल्या. आनी हे
म्हाका कोंकणिच्या सगळचा आंगांकडेन आत्मनिष्ठ नदरेनूच
शिकयला.

फुलयो घालून ज्या कविचो हांवें अुल्लेख केला ताचें मोल
खबर ना अशें न्हय. मोल खबर आसा म्हुण्णूच तर तागेलें
हांवें छापलां. अितलेंय आसून Thus far no further
क लक्ष्मण-रेषा हांवें ताचे भोंवतणी घाल्या.

च भूमिकेंतल्यान हांवें XXX चेर बहिष्कार घाला. कोंकणी-
एक व्हड साहित्यकार. दुबावूच ना. आयज जे आमी
यतात तांचें साहित्य एक दीस केन्नाय तरी अितिहासजमा
हाचें घडये अुरतलें. तरी आसतना म्हजो बहिष्कार
ना.

य स्वतंत्र जालां त्या वेळार गोंय गिळपाक कांय आसुरी
गां धुमशेणा कांडूंक लागिल्ल्यो. भारताच्या नकशा वयलें
गोंयचें नाव निशाण लेगीत पुसून अुडोवपाक त्यो वावरूंक लागिल्ल्यो.
ह्या शक्तीं आड आमी सगळे प्राणपणान झुजताले. रगत आटोवन
झुजताले. जिवाचें रान करून झुजताले. गाळी खाताले. फातर-गुंड
खाताले. त्यावेळार हो मनीस आमचो पगड सोडून त्या आसुरी
पगडाक वचून मेळिल्लो. ह्या आसुरी पंगडाक सत्येवेलो काडले
बगर गोंय गोंय अुरचें ना अशें आमकां सगळचांक दिसतालें, म्हुण
ताका सत्येवेलो निखळावपाक आमी भितर विधानसभेंत
अविश्वासाचो थाराव हाडपाक वावुरताले. तर भायर मोर्चा
काडटाले, सत्याग्रह करताले, पुलिसांच्यो लाठयो खाताले, बंदखणींत
वताले. त्यावेळार हो त्या पंगडाक तेंको दितालो आनी तो
पडना म्हुण आनंदित जावन ताच्या म्होरवयाच्या गळचांत फुलांचे
हार घालतालो. (ताका हें सगळें साने गुरुजीन शिकयल्लें खय)
तागेली त्या वेळावेळी ही करणी 'चूक' म्हणपा सारकी सादी
नाशिल्ली. 'अपराध' म्हणपा सारकी ल्हानूय नाशिल्ली. हिन्दी
भाशेंत सांगचें जाल्यार, तागेली ही 'गद्दारी' आशिल्ली.
त्राअिसांव आशिल्लें

फाटल्यान येवन कोणेंय सुरो मारचो अितलें दुख्ख म्हाका
त्या वेळार जाल्लें.

नव्या लोकांक तागेले हे गद्दारीची कांयच खबर ना. पोन्ने
लोक विसरूंक लागल्यात. तो तर साप्प विसरून गेला हांव विसरूंक
ना. फाटल्या सतरा-अठरा वरसांत विसरपाचो जायतो यत्न केलो
हांवें. विसरूंक पावूक ना. म्हगेलो गांधीवाद हांगा सामको पांगळो
पडला. हांव कबूल करतां, हांव ताका खूब seriously घेवन
ताचेर अन्याय करतां अशेंय केन्ना केन्ना दिसता. पुणून कितें करूं ?
म्हजी 'तिडक' म्हजी अित्सा नासतना म्हजे वागणुकेंतल्यान
अुकती जाता. तिचेर म्हजो अुपाय अजून चलूंक ना.

हांव ताकाय 'आमचो' मानिना.

वस्तुनिष्ठ नदरेन म्हज्यान 'तटस्थ' रावं येतालें. रावतांय
बी केन्ना केन्ना. पुणून म्हजी आत्मनिष्ठ नदरूच सदां जैतवंत जाल्या.

देखुनच जावये, म्हजी नदर साहित्या परस साहित्यकारा-
कडेन चड वता. साहित्यिक हो मनीस ह्या नात्यान व्हड आसत
जाल्यार तागेलें साहित्य 'ल्हान' आसूं, म्हाका तें आवडटा.
साहित्यकार मनीस ह्या नात्यान 'फूंच' आसत जाल्यार, तागेलें
साहित्य केदेंय व्हड आसूं, म्हाका तें दोळचां मुखार नाका जाता.

दोन दाखले दितां—

बाकीबाबान मराठीक जें दिलां ताच्या शंबराव्या वांटचान
लेगीत कोंकणीक दिवंक ना. ताच्यान दिवं येतालें. ताणे दिवंक
जाय आशिल्लें. पुणून दिवंक ना. कोंकणीचेर बाकीबाबान हो
अन्याय केला. त्या खातीर म्हाका ताची तिडक माल्ल्या. हांवें
म्हजी ही तिडक शिणाच्या रूपान खासा बाकीबाबा मुखारूच
जायत्यो खेपो अुक्तीय केल्या.

पुणून जेन्ना जेन्ना हांव ताचेर तिडकलां तेन्ना तेन्ना अेक
प्रसंग म्हज्या दोळचां मुखार येवन अुबो रावला—

गोंय मेकळें जालें आनी त्याच बरसा पणजेंत गोमंतक मराठी साहित्य संमेलनाचें अधिवेशन भल्लें गोंय गिळपाचें महाराष्ट्राचें तें पयलें पावल आशिल्लें. हांवें बाकीबाबाक वचून विचाल्लें, ‘ तूं ह्या अधिवेशनाक वतलो ?’

‘ म्हाका आमंत्रण आसा. आनी अेका संमेलनाचो हांव स्वागताध्यक्ष आशिल्लों. म्हुण थंय वचपाचो म्हाका अधिकारूय आसा.’– बाकीबाबान म्हाका जाप दिली.

हांवें म्हळें, ‘ तुका केदोय अधिकार आसूं वा तुका केदोय आग्रो जावं. तूं वचूं नाका. ’

बाकीबाबान म्हाका कित्याक कितें कात कितेंच विचाल्लें ना. ‘ बरें आसा ’ अितलीच जाप दिली.

बाकीबाब गेलो ना. आमी सगळे गेल्ले. गोंयां आड कितेंय घडलें जाल्यार अधिवेशनूच मोडून घालतले ह्या नित्शयान गेल्ले.

आमची खरी चळवळ त्या दिसा सावन सुरू जाल्या.

‘ घरचे भेदी, भायले चोर, सांगात तांकां वान्समोर ’ अशें आड्‌डत आड्डत आमी त्या दिसा पणजी सगळी अुपथी घाल्ली त्याच दिसा गोंयान कूस परतिल्ली.

दुसऱ्या दिसा सकाळीं हांव बाकीबाबागेर च्याक गेल्लों. जिस्त त्यावेळार तर्कतीर्थ लक्ष्मणशास्त्री जोशी तागेर आयिल्ले पळेले. तांच्या वांगडा आनीक दोग तीग जाण आशिल्ले. अेकल्याचो अुगडास जाता : वि. गं. देशपांडयांचो. त्या वेळार ते ‘ गोमंतकां’त काम करताले. दुसऱ्या दोगांत एक घडये बांदोडकार आसूं येतात. सारको अुगडास जायना. तिसऱ्याची मातूय याद जायना. तर्कतीर्थान बाकीबाबाक म्हळें, ‘ सातान्याक मराठी साहित्य संमेलनाचें अधिवेशन भरपाचें आसा. तुका अध्यक्ष करचो अशें आमच्या सगळयांच्या मनांत आसा. ’ परंतु कोंकणी विषयींची तुमची भूमिका काय राहील हें प्रथम जरा स्पष्ट करा.’

बाकीबाबा संबंदान जायतें कितें कितें आयकल्लें. ताच्या संबंदान म्हजे तरेतरेचे समज गैरसमज आशिल्ले. बाकीबाब कितें जाप दिता ती आयकुपाक हांव अुचांबळीत जालों.

बाकीबाबान जाप दिली. ‘ गेल्या चाळीस वर्षांपासून मराठी शारदेची सेवा करीत आलो आहे. तिचं कौतुक म्हणून जर हें अध्यक्षपद देणार असाल तर अत्यंत कृतज्ञतेनं स्वीकार करतो.’

रोखडोच बाकीबाबाचो सूर बदल्लो. तो तीख जालो. आनी म्हज्या कानार आनीक–अेक वाक्य पडलें, ‘ परंतु कोंकणी विषयींच्या माझ्या विचारांना मी मुरड घालावी म्हणून जर तुम्ही मला ही लांच देणार असाल तर लक्षांत ठेवा, बोरकर स्वत:ला विकणारा माणूस नाही. ’

तर्कतीर्थान म्हळें, ‘तुम्ही प्रतिभावंत आहांत ... ’

तर्कतीर्थाचें वाक्य पूर्ण जावंकूच नाशिल्लें. बाकीबाबान तें पूर्ण केलें, ‘ मी प्रज्ञावंतहि आहे. ’

कोंकणिच्या मळावेलो म्हजो बाकीबाब तो हो. ‘पांयजणां’ तलो वा ‘सासायें’ तलोच फकत न्हय. तोवूय व्हडलोच. जायत्या ज[illegible] व्हडलो. पुणून आमच्या ‘ काँझा ’ कडेन अेकरूप जाल्लो [illegible] कवी बाकीबाबा परस कितलोसोच व्हडलो.

देखुनूच तो ‘ आमचो ’ अितलेंच न्हय, तर ‘ आम[illegible] व्हड तांच्यांत लेगीत व्हडलो ’ कोंकणिच्या मळार के[illegible] सुवातेर बसोवं येता, बसोवंक जाय असलो.

म्हजें हें मूल्यमापन सामकें आत्मनिष्ठ कबूल. पुणून [illegible] मूल्यमापन निखटें वस्तुनिष्ठूच अुल्लें जाल्यार तें कुड्डें जा[illegible] कुड्डचा मूल्यमापनाक म्हजे नदरेन कसलेच मोल ना. [illegible] लेगीत.

आतां दुसरो दाखलो–

महाभारता भाशेन हांव रामायणाचोय अेक भक्त. [illegible] कोंकणींत हाडलां तशें अेक दीस केन्नाय तरी रामायणूय [illegible] म्हुण रावलां. म्हजे कडेन वाल्मीकिचें रामायण आसा, तुल[illegible] आसा. कम्बनचें आसा. रामायणाचेर जायत्या जाणानी ‘[illegible] केला. तसलीं अभ्यासाचीं कांय पुस्तकांय आसात.

ग. दि. माडगूळकरांलें ‘ गीतरामायण ’ ना. तें घे[illegible] येवजिल्लें. मुम्बय सुधीर फडक्यांच्या ताळयांतल्यान तें अ[illegible] आनी खूब प्रभावित जाल्लों.

घेवपाचों आशिल्लों.

अवचित् अेक दीस अेक पुस्तक हातांत पडलें. तातूंत [illegible] कारांलो अेक लेख वाचपाक मेळ्ळो. आमच्या दयानंद बां[illegible] वेलो. कितें वाचूंक मेळचें म्हाका तातूंत ? – ‘ बांदोडकरां[illegible] हा महाकाव्याचा अेक विषय आहे ’ हें मेळ्ळें वाचूंक !

‘ हे राम ’ म्हज्या तोंडांतल्यान अुतरां फुटलीं. ‘[illegible] हागेल्या गीतरामायणांतलो राम आमच्या भाअू येदोच तर [illegible] म्हाकाच म्हळें.

परिणाम : गीतरामायण हांवें घेतलें ना. केन्ना घेव[illegible] म्हाका ताची किंमतूच ना.

देवान प्रतिभा दिल्या म्हुण कितेंय बरोवचें ? [illegible] अेक दोन पेगां खातीर देवान दिल्ली प्रतिभा अशी विकची [illegible]

कसलें साहित्य हें !

आनी कसले साहित्यकार हे ! !

‘ अुणाक ’ म्हुण आनी कोण वेगळे आसतात व्हय ?

शीब अेकेकाचें !

— भरत रघुवीर नायक

दोन दाट पुस्तकां अेकाच हातांत धरून समीर लायब्ररीचीं दिंवून सकल आयलो, आनी रस्त्यार पांय दवरपाक अचकीत चोर–पावलांनी पावस ल्हवूच धर्तेर देंवतालो. अितलो वेळ पुस्तकांत आशिल्ल्यान वोत वचून पावसाचो काळोख केन्ना हें ताका कळ्ळेंच ना.

ताका हरशी ताकीद कसलीच ना. घरा वचून पुस्तकां वाचीत – बेठोच भिजप कित्याक ? वता तेन्ना वचू पावसाक. तो म्हण्टच हांव वतलों– अशें येवजून फुटपायरेच्या पाख्यापोंदा कांवागडा तोय हात कांबरून पावसाक पळयत अुबो रावलो.

‘ कितलो सुंदर पावस पडटा ! शांत ! सरळ ! अेक वांकडी ळबापसून जमनीमेरेन चांदीच्यो सरयो ओडून बांदिल्लेवरी. ’

कांय वेळान टप्… टप्… आवाज येवपाक लागलो आनी पावस वाढत गेलो. बेत्याच्या पाख्यावयल्यान पावळचो ञशो गळटाल्यो.

ह्या पावळच्यांनी बेताल वाजून सुंदर देखाव्याची लेगीत अबाडली. त्यापरस नळ्याच्यो पांवळचो बऱ्यो. लांबतीं कानातलींशीं लांबत अुरतात. तांचो आवाज लेगीत कितलो तालबद्ध! पावळेपोंदा रितें लात बीन सांपडत जाल्यार पांवळेच्या त्या ठेक्याचेर गीतां गावची. पुण हो पावस मात खऱ्यानीच सुंदर दिसता… ह्या चांदीच्या सरयांतल्यान चलत रावचेशें दिसता… भिजल्यार भिजू. हांव वता पावसातल्यान चलत. असलो पावस बन–बन पडना. ’

– ‘ हॅलो सामीर, कोणाची वाट पोयेताय रे ? ’

समीरान अेकदम मान घुंवडावन पळयलें आनी तो गोंदळ्ळो. त्या चेडवान आपल्याक अुलो माल्लो हें ताका खरेंच दिसलें ना. ताका आपलें नांव कशें कळळें ? … पुण ताजेवांगडा उशाक पळोवन ताका समजलें. उशानूच ताका आपलें नांव सांगलां जातलें…

तीन चार वर्सां जालीं, तें चेडूं समीराक केन्नाय पणजेंत भेट्टा. दोगांय अेकामेकाक तोंडान वळखतात. बयलेवयर उडटी वळख ती. अेकामेकाची नांवां खबर नासलीं. वाटेर केन्नाय चोयल्यार तें चली मुजरत ताका हटकिता आनी सामकें वळखल्ल्यावरी हांसता. समीराक पळोवन चाल ल्हव करता. पुण तो केन्नाच ताजेकडेन उलोवंक रावलो ना.

अितलीं वर्सां हें चेडूं आसा तशेंच आसा. व्हडलोसो कांयच बदल जालोना. भेंड, खांदे, बचकूल सगळें तशाक तशें. बदल्लें तरी ताका खंगूय वळखूचें तें ताज्या गालावयल्यान. ताजेकडेन उलोवपी मनशाची नदर ताज्या गालांचेरूच हुमकळटा. अेक अेक गाल म्हळयार तांबडो आपोल. हांसतना तें वाळवो पेंचता तेन्ना तर ते आनीक मोठे जावन दोळ्यांक तेंकतात. ताचें चडशें अुलोवप हांसतूच जाल्ल्यान सगळो वेळ दोनूय आपोल दोळ्यांकूच तेंकिल्ले आसतात घडये हांसतना आपले गाल सुंदर दिसतात हें जाणा जावन मुद्दमूच तें हांसत उलयता जावये.

‘ पावस थारपाची वाट पळयतां– ’ बऱ्या वेळान समीरान जाप दिली.

‘ रोझा, तें येवपाचें आसतलें गो ! –’ धांपिल्ली ओली सत्री फाफडीत उशान म्हळें.

समीराक रोझाचें नांव कळळें. ‘ ग्लॅड टु मीट यू रोझा. अितल्या तेंपान आयज तुझें नांव कळळें. ’

रोझान आपलो गुबगुबीत हात ताज्या हातांत दिलो. रोझा मुखार उशा दिसच नासलें म्हळयार जाता. हरशी म्हूण तें काळेंच. रोझाच्या गोऱ्या कातीमुखार तें चडूच काळें दिसता. तरी लेगीत रोझाक हात दितना ताजी नदर उशाचेरूच आसली.

… मेट्रीकेंत शिकतना उशा कितलें बरें दिसतालें ! काळें आसुनूय मुखामळार कांत मारताली. कानांत भांगरांचे डुल, गळ्यांत सुता अितली पातळ सरपळी, उजव्या हातांत रव्याच्या मोदेलाचीं दोन कांकणा, दाव्या हातांत बारीक घडयाळ, बोटांत रींगांची मूदी, आनी नाकांत लांबत्या मोतयाची पिली घालून तें शाळेंत येतालें तेन्ना गोऱ्यो चलयो ताजेमुखार फीक्यो पडटाल्यो. केसांत फूल माळळ्याबगर मात तें केन्नाच यनाशिल्लें…

... आयज उशाच्या माथ्यांत एक धुल्लान लोळलेलें प्लास्टीकचें फूल आसा. पिली घालपाचो नाकाचो बुराक पुरवला. कानाच्या पाळयेपोंदा खोरोज जाल्लेवरी बुडबुडीत जालां. तें लिपोवपा खातीर ताणे कानावयल्यान केंस काडल्यात. बोटांत आलिमेनची बाजारी मूदी घाल्या. हातांत तसलींच पुण बावगोवन सारकी केल्लीं कांकणां आदलें रूप उशाच्या आंगार मात लेगीत दिसनासलें. गळयाच्यो शिरो वयर सरिल्ल्यो. उलयतना त्यो चडूच फुगताल्यो. दोळे भितर गेल्ले. सगळें तोंड आंवुळळेल्याबशेन बारीक जाल्लें. साडयेच्या पालवान अेक भूज लिपलें तरी दुसऱ्या भूजावयलो हाडाचो गड्डो कळटालोच. मोटवो ब्लावज घातिल्यान बोरी चडूच स्पश्ट दिसताल्यो. पोटापरस हड्डें मातूय उबार नासलें.

समीराचे दोळे हड्डयाचेर पावले तेन्ना उशा लजलें. हातान पदर ओडून हड्डें लिपयलें.

‘ कितें गो उशा ? ... बरें नासलें ?’– समीर उशाच्या दोळयांत दोळे घालून उलयलो.

‘ कित्याक ? बारीक दिसलें ? हांव मुदलचेंच बारीक–’ ओल्या सत्रेच्या थेंब्यानी उशा जमनीर रांगोळी घालतालें.

‘ म्हाका खबर ना तु पयली कशें दिसतालें तें ?’

उशा आनीक लजलें... पयलीचें उशा कितलें भोळें ! उलयता उलयता हाताक धरतालें. सामके सादें. कांयच समजनासलें. लजपाक तर ताका कळच नासलें.

पांच-स म्हयन्या फाटी प्रकाशाचें लग्न जालें, ता गळो उकतोच...

‘ आमी कुशीक राबोया गोउशा. तेकोडेन उलोय जाल्यार तेजें फ्रेंड पोत्तून वोसोंक लागीत.– ’ रोझा ख हांसत उलयलें.

‘ खरेंच रोझा. हांव कोणाक रावना. म्हाका फ्रेंडू कोणाची पळयतलों ?’

‘ यू आर वेलकम अॅट अॅनी टायम्. वी आर यू न्होय गो उशा ? आमीय कोण मेवता काय पोयेताय. ’ रो सोपेपणान आनी हांसत उलयलें कि समीर थप्प पडलो. भरूच. तोय भुरगो नासलो. लग्नाचो जाल्लो.

रोझावरीच हांसून समीरान विचाल्लें– ‘ तुमी भोंवता कितें गो ?’

‘ आमी गरोवेंक भोंवना. कोण गरी घालता सोदूक भोंवता. हांयस खावप आनी गरी सोडून दिव सगळें आंग हालयत हांसलें. ताका सांगात दिवपाक उशा

‘ गरी ताळचाक लागली जाल्यार मात शेणलीं

‘ कांय शेणोना. गरयेक शिरकनासताना हांयस कामांत आमी expert मुरे. कितें गो उशा ?’

‘ मे आय ट्राय ?’

‘ बाय ऑल मिन्स. ’

With Best Compliments From :

SALGAOCARS

Mining and Export of Iron-ore ? International Shippers ? Barge Builders ? Manufacture of Industrial Gases ? Chemicals ? Hotelier ? Travel Agency ?

Yes, all these and much more :

V. M. SALGAOCAR & BROTHER PVT. LTD;

Salgaocar House,
Vasco-da-Gama 403 802, Goa.

Grams ;
VIMSON

Phones ;
2111 (4 lines)
3241 (3 lines)

Telex :
0191-211/265

Offices at :-
Bombay New Delhi Bangalore

ताां रोझान हात फुडें केलो आनी समीरान ताज्या हातार
लो. रोझान आपल्या बोटान ताज्या तायटाक कुरूकुरू
यो केल्यो.
'गावस बारीक जालो. चोल म्हज्या सत्रेंत यो.'– घडयेचे
डो भायर ओडून लांब केलो आनी रोझान सत्री फुलयल्ली.
'वचप खंय ?'– समीरान विचाल्लें.
'हे त्या हॉटेलांत !' अेका तीन मजली बिल्डींगेक रोझान
ायलें. 'चोल यो'
'तुजी सत्री तुकांच पावचीना. हाव उशाचे सत्रेंत येतां.
उशा, फुलय.'
ा उशा जागचें हाल्लेंचना.
'माऽऽय ! दोगांकूय वोत्ताय ?' रोझान सोमतो हात
वल्लो. 'कोणूय अेकटें मेवतेलें. तें जाल्यार तें. हांव जाल्यार
े गोरयेक अेकूच भोवशें ... !' रोझान स्पष्टीकरण दिले.
'तलो वेळ वगीच रावून आयकूपी उशा अेकदम रोझा
वचून दोळयांनी सिनलां करीत फुतफुतूंक लागलें.– 'रोझा,
तुजो फ्रेंड आयजूय आयला. तो पळय फाटल्यान.'
'हाय आयडा' म्हणीत तो रोझा म्हऱ्यांत आयलो.
'येक्स्क्यूझ मी समीर, तुमी उलोयात. हांव रोकडेंच येतां !'
जेवांगडा चलत रावलें. समीर गोंदळळो.
'ताणे रोझाक आयडा कित्याक म्हळें गो उशा ?
'मर्जी ताजी ! तो ताका त्या नांवान वळखता. नावांत
ा ? तुज्यान म्हाका राधा म्हणू नज ? लोक म्हाका
णून वळखतात.
'हांव तुका उशा म्हूण वळखतां... आरे ! रोझा त्या
गेलें. येतलें तें बेगीन ?
'येवपा जाल्यार पंदरा-वीस मिनटां भीतर येतलें. ताणे
जाल्यार फाल्यां... कित्याक ? तुका तेंच जाय ? हांव
?
चल या'–समीर.
'वचच्या पयली म्हाका सांग. हांव तुका उशा म्हणून जाय
ा म्हणून ?
म्हणचे ? नावांत कितें आसा ?'
शा गोंदळ्ळेलेबशेन जालें. परतून सत्रेचें पोंत जमनीर ओडीत
डखळत म्हळें– 'म्हणचे ... ...म्हणचे ... आदली ती वळख
ाय... थोडया वेळापुरती ... ?'
खिणापूरती जाल्यार ?' समीरान बळयां विचाल्लें.
या हॉटेलांत' रोझा गेलां त्याच हॉटेलाक ताणे बोट दाखयलें.
आनी... आदली जाल्यार ?
दुसऱ्या. हांव दाखयतां.
नाका. आमी तिसऱ्याच हॉटेलांत वचूया. हांव व्हरतां.
ुजेकडेन फक्त उलोवंक जाय.
वस आता थारलो. पुण पावळचो अजून गळटाल्यो. रस्ते
ासले. पावशी दमट वचूंक नासली. भेंडाक खोयल्लें पदराचें

पोंत सोडून उशान पदर फाटभर लोंबतो केलो. बोंबले सकल देंवयल्ली साडी मात्शी वयर काडील्ल्याबशेन केलें आनी तकली सकल घालून समीरावांगडा चलूंक लागलें.

ह्या हॉटेलांत चड लोक येना. जोडपींच चड येतात. उलोवंक बरें मेळटा हांगा. कोनशाकशें मेज सोडून उशा बसलें आनी साडी लागशी करून समीराक बसपाक जागो केलो. पुण समीर ताज्या सामकारचे बसकेर उशाक फुडो करून बसलो.

– कितें खातलें ?

– तूं दिता तें. भाजी पाव आसा जाल्यार हाडूंक लाय.

समीरान दोन मसाले पोळे, दोन च्याक ऑर्डर दिली. कांय वेळ दोगांय अेकामेकाक नियाळीत वगीच बसलीं.

'कितें पळयता ?'– दोळयार आयिल्ले केस पयस करीत उशान म्हळें.

– खूप तेंपान पळयलें तुका !

– पांच वर्सांनी.

– अितलो हिशोब दवल्ला ? अितलो तेंप खंय आसलें ?

– प्रकाशा वांगडा... हय, प्रकाश गावणेकार. ३१ डिसेंबराक रातचे हांव घरा येवना म्हूण १ जानेराक म्हाका घराकडें माल्लें. तेन्ना हावें घर सोडलें. वतना तुका जनेलार पळयल्लो हावें. म्हाका पळोवन तोंड घुंवडायलें तुवें. प्रकाशान म्हाका पणजेच्या फ्लॅटांत दवल्लें दोन वर्सां ताणे म्हजेवांगडा मजा माल्ली. ताजें सगळें काम किर्यादावरी हावें केलें. अुमळप-पिळप, नुसतें हाडप, रांदप... ताजी बायलूच जावन रावले हांव... अेक दीस प्रकाशान येवन म्हाका सांगले– 'म्हजो साकरपुडो जालो. ३० तारखेर लग्न थरलां. लग्ना अुपरांत आमी हांगा रावतलीं. तुज्यान हांगा रावू येता. काम करपाक. तुका पगार दितलों...हाव...हांव...

पदरान तोंड धांपून उशा घुस्मटून रडपाक लागलें.

'वगी राव' समीरान ताका धीर दिलो... 'मागीर तुवें कितें केलें ?'

– हावें ताका खूप सांगून पळयलें पुण ओमथ्या कळशार. तो लग्न जालो. हांव ताजेरूच कामाक रावलें. किर्याद म्हणून.... पुण... पुण ताजे बायलेन म्हाका धांवडायलें.

उशाचीं दुकां कशींच थारना जालीं. तें हुंडके दीत आसलें. समीर कांयच उलयलोना. बऱ्या वेळान उशान दोळे पुसले आनी तकली वयर केली.

'आतां तू कितें करता ?'– समीर.

– धंदो ! पोट भरपाखातीर. ल्हानसो. भांडवल लागना तसलो आवयल्या घराचेर हावें केन्नाच खोंट माल्ली. आतां प्रकाशालेंय घर म्हाका ना. ह्या धंद्यांत न्हीदूंक तरी जागो मेळटा. फुटपायरेर न्हीदचे परस तें बरें न्हय....?

समीराक उतर फुटना जालें. वेटरान हाडून मसाले-पोळे मेजार दवल्ले तेन्ना उशान तकली सकल घालून दोळे पुसले आनी पदरान नाक पिळळें.

– हांव जाणा, म्हजो सभाव म्हाका नडलो. नाजाल्यार तुज्याच वांगडा... प्रकाशान फायदो घेतलो रे म्हज्या सभावाचो—

– आता उलोव नाका. हे खा.

उशान दुकां गिळळीं आनी सगळो पोळो थारनासना एका दमान सोंपयलो. समीराचो पोळो सोंपच्या पयली तें च्याबी घेवन मेकळें जालें.

– हें केन्नाच्यान सुरू केलें तुवें ?

– पांच म्हयने जाले. प्रकाशाचे बायलेन म्हाका दाराभायर लेगीत न्हीदपाक जागो दिलोना. दोन राती हावें फुटपाथरेर उपाशी न्हीदून काडल्यो. तिसरे दिसा जीवूच दिवपाचें थारायलें .. पुण उपाशी पोटार नाका. पयली पोटभर जेवतलें आनी मागीर पुलार वचून घालून घेतलें म्हूण जवणाचे सोदीक भोंवले. अेके खानावळींत मालकाकडेन जेवणाची याचना करतना रोझान म्हाका पळयलें. तें त्याच हॉटेलांत जेवतालें. ताणें म्हाका आपल्या म्हऱ्यांत बसयलें आनी पोटभर जेवंक घातलें. ताका हावें म्हजें सगळें दुख सांगलें. तें म्हाका आपल्या रूमांत घेवन गेलें. न्हावन धूवन न्हेसपाक दिलें. आनी आपल्या वांगडा सुखान रावपाक सांगलें. मदीं मदीं ताका हॉटेलाचो वेटर आफोवंक येतालो तेन्ना तें म्हाका अेकटयाक रूमांन सांडून वतालें आनी अर्दवरा भरयान परत येतालें. त्या दिसा त्या हॉटेलांत खूप टुरीस्ट आयिल्ले. रोझा परतून परतून भायर वतालें, आनी परत येवन चावयेंत पयशे दवरतालें. त्याच दिसा रोझान म्हाका काम करता काय विचाल्लें. दुडू खूप मेळटात अशें सांगून म्हाका फुलयलें. जीव दिवपाचो बेत हावें रद्द केलो. हांव प्रकाशाकडें कितें करतालें ? हांगा दुडू तरी पयशे गांठीक जातले. पोटाक पोटभर मेळटलें, अशें त्याच दिसा काम सुरू केलें. टुरिस्टांच्यो दोन बसी आ दिसा हॉटेलांत. रोझान म्हाका त्या दिसाखातीर वापरपाक दिलो. उदक पिवपाक फुरसद नासली. जाली. जीणेची आस वाढली.

अेक दीस म्हाका जोर आयलो. तातूंत हांव मागीर म्हाका अेक रोग जालो. चड दादल्या बरोब असो रोग जाता अशें दोतोरान म्हाका विचारतकच रोगांतल्यान हांव बरें जालें पुण म्हजी ही दशा ज आंगलट त्या रोगान खाल्लो. जोडील्ली जोडूय खा म्हाका कोणूच म्हऱ्यांत घेना. रोझा मुद्दाम गिरायक म्हाका पळोवन नाक मुडींत परतता. आठ आण्यांक कोणांक नाका. आतांतर रोझाकूय हांव जड जालें. म्हाका सरळ सांगलें, खयतरी दुसरेकडें वच म्हणून...

'तूं घरा कित्याक वचना ?'– समीरान काकुळत 'आवयचें काळीज... सॉरी, तुका आवय ना हें विसल खंयच्याय बापायक आपली धुव अशी रस्त्यार पडिल्ली हांव जाल्यार सांगतां तुज्या बापायक.'

– नाका. ताजेकडे वचून म्हूण हांव कितें कर धंदे सगळयांक खबर आसा. म्हजें लग्नूय जावप आ

अ. भा. कोंकणी लेखक संमेलनाक
आमचीं
हुनहुनीत परबीं



मे. डी. व्ही. कामत ॲण्ड ब्रदर्स

न्यू मार्केट,
मडगांव-गोंय

ापायचे तकलेंर पेज कित्याक घालू ? आता म्हाका
ा...
न रडपाक लागलें.
र अेक उपकार करता ? ' उशान ताजो हात धल्लो.
.
समजल्लें तू म्हाका गिरायक घालतलो म्हूण. म्हाका
य. म्हाका रूमांत व्हर, रूमाक फारीक करचे लागचे
ून चावी घेतां हांव. म्हाका फकत चार रुपया दी.
... तुजे उपकार विसरचेंना हांव. तो रोग बरो जालो

ाराची भास उलोवं नाका उशा. हांव म्हजें कर्तव्य
ैशे दितां पुण तुज्यावांगडा...
नज. फकत चार रुपया दी.' उशान हात फुडें केलो.
ाच्यो चार नोटी उशा म्हऱ्यांत दवल्ल्यो. उशान
काडली.
ळे दवर तुका. म्हजेकडेन आसात आनीक.' समीरान
नोटो उशा म्हऱ्यांत धुकलीत म्हळें,
. म्हाका एकूच जाय. आनीक घेतल्यार हांव परतून
.
न पंदरा रुपया बोल्सांत घातले, आनी दोगांय उठलीं.
ारीक करूंक गल्ल्यार उबो रावलो. उशा दाराभायर
त हालोवन सोर्तीकाराक आफयलो.
बी सोर्त आसा ?'— उशान विचाल्लें.
राष्ट्र, बंपर डॉ, अकरा लाख रुपया.' सोर्तीकारान
हातांत दिली. आनी उरिल्ले पैशे परत दीवन तो
भायर सरतांच ताणे ती सोर्त ताज्या खुमसाच्या
ली आनी उपकारान भरिल्ल्या दोळ्यांनी अेक नदर
उशा गेलें.
घरा गेलो पुण ताजें खंयच लक्ष लागलेना. उशाची
ली ! ताजें फुडें कशें ? असले प्रस्न ताका सतायताले.
गेल्यार न्हीद कशीच येना. तीन वरां जालीं तरी
टना. उशाक कोणूच लागी करचोना काय ! कोणंच
ना जाल्यार तें भीकेक पडटलें. बापायक सांगीत
ळत येवचोना ? तेच तेच प्रस्न परतून परतून येत
मणे ताणे थरयलें— फाल्या सकाळी पयली उशाच्या
टलों. ताका ताजी परिस्थिती समजावन सांगतलों.
ोना जाल्यार हांव ताका घेवन घरा येतालों हांव
ताजेकडेन. हांव ताका आदार दितलों. ताका ताजी
. नवी. मागीर म्हाका कितल्योय पिडणूको सोसच्यो
ीत हांव पर्वा करचोंना, उशाखातीर. अेक जिवीत
र.
अुठून समीर पेपर हाडपाक गेलो. वतना वाटेर येव-
च्या बापायकडें कशें उलोवप ताजी तयारी करतालो.
न ताणे पेपर घेतलो आनी खबऱ्यांचेर धांवती नदर

' महाराष्ट्र राज्य लॉटरी, सोडतीचा निकाल ' कालची सोर्त ताज्या बोल्सांतूच आसली. सोर्त पेपरार दवल्ली आनी नंबर वाचलो ' बी. एन. ९५–२४३७७ ' अुपरांत पेपरावयलो पयलो नंबर वाचलो ' बी. एन. ९५–२४३७७ ' तोच नंबर. तोच ? ताजो विस्वासूच बसना. ताणे दोनूय नंबर परतून वाचले. तेंच पयलें बक्षीस ! उमेदीन पावलां उडयत तो घरची वाट चलपाक लागलो. पावलां खंय पडटात ताकाच खबर ना. वयल्या वयर अंतराळांत चल्लेल्यावरी तो चलतालो. दारांत पावल भीतर घालचे पयलींच ताणे आवयक उलो माल्लो. ' आई ! सोर्त लागली. पयलें बक्षीस. अकरा लाख रुपया. आता उशा गिरेस्त जालें. आता ताका कोणाच्याच आदाराची गरज ना. उशा लक्षाधीश जालें. '

समीर उमाळ्चाभरशी अितलो फास उलयलो कि आईक ताजीं कांय अुतरां समजलींचना.

' कोणाक सोर्त फुटली रे बाबा ? ' आईन खोशेन विचाल्लें.

' उशाक. कामतीच्या. '

' कामतीच्या उशाक ? तुका न्हय ? ' आईच्या तोंडावयली खोस नाच जाली. ' पुण खंयचो कामत रे ? हो मरे फाटले वटेचो ? '

— हय आई, ताजें चली, उशा प्रकाशा वांगडा पळून गेल्लें पळय तें.

— रावरे ! तें उशा अजून आसा ? फाटीं मेलें म्हणून सांगी मरे ताजो बापूय.

' अशें सांगी ? तशें जाल्यार तो ताका घरांत घेवचोना तर ! पुण... येदी व्हडली सोर्त फुटल्या म्हूण कळत जाल्यार— नाका घेवं आता ताका गरजूय ना. '

च्या बी कांयच घेनासतना समीर पेपर घेवन धांवलो. ' च्या पी आनी वच मरे बाबा ' ताज्या फाटोफाट आवय फुडल्यादारा आयली.

' उशाक मेळून रोकडों येता गे आई ' तो धावत सुटलो.

सगळे शार थंड आसलें. दूद केंद्राचेर मात लोकांच्यो रांगो. अदी मदी अेकाद्री सायकल, स्कूटर, गाडी वताली तितलीच. समीराचें कोणाचकडें लक्ष नासलें. लांब व्हड धेपां मारीन चलत आसलो.

अेका बिल्डींगेच्या अिस्कादेर लोकांची गर्दी जाल्ली. ' सकाळीफुडें हांगा गर्दी कित्याक ? ' दुदाच्यो पोतयो, पेपर हातांत धरून पिजामींतले लेगीत अेकामेकाकडे गंभीरतायेन उलयताले आनी दुखेस्त जावन फुडें वताले. समीरान चलता चलता वगीच अेका मनशाक विचाल्लें— ' थंय कितें जालां ? लोक कित्याक जमल्यात ? '

—' तेंच्या किर्यादान गोळ लावन जीव दिलो.'

' तेंचें किर्याद तें ? त्या बाजाराकडल्या हॉटेलांत आसतालें मरे तें —' दुसऱ्यान मदींच तोंड घालें.

' तसलेय धंदे करतालें तें. पाड पडूं ताजें. मेलें तें बरें जालें ' जाण्टेलो सायकलीर बसलो आनी पेदाल मारीत गेलो.

गर्देतल्यान वाट काडीत समीर सपणां चडून वयर गेलो. अेका फ्लॅटाच्या दारामुखार उशाचें मडें हुमकळटालें. फ्लॅटाच्या दारार नांवाची पाटी आसली. ' प्रकाश गावणेकार '



प्रतिक्रिया

भौ. सुरेशबाब बोरकारांक उकतें पत्र

भौ. सुरेशबाबाक

आदरान नमस्कार

ह्याच मासिकाच्या फेब्रुवारी ८५ च्या अंकांतलो तुमचो लेख, वाचलो. ह्या लेखांत तुमी म्हळां, कि 'कोंकणीचें प्रमाणीकरण' हे लेख उजवाडा आयल्या उप्रांत म्हजे लेख उजवाडा आयल्यात, पुण खरें अशें घडूंक ना. कोश, व्याकरण, शुद्धलेखन असल्य विशयांचेर म्हजे लेख येवंक लागल्या उप्रांत केन्ना तरी 'कोंकणीचें प्रमाणीकरण' गांवाचे लेख उजवाडा येवंक लागल्यात, अशी म्हाका याद आसा. फाटले सगळे अंक म्हज्या हाताकडेन नाशिल्ल्यान तारीखवार सांगूक मेळना.

शुद्धलेखनाचेर बरौपी लेखकांचीं नांवां सांगता आसतना तुमी सौ. ललिता खांडेपारकार आनी भौ. अ. ना. म्हांबरो ह्या नांवांचो आसपाव करूंक जाय आशिल्लो. त्या दोगांनीय शुद्धलेखना-चेर बरैलां. ललिताचो जाल्यार एक बरोच मोठो लेख ह्याच मासिकांत आयिल्लो.

तुमच्या लेखांतल्या 'अ–१' नंबराच्या वाक्याचो अर्थ सारको लागना. बरैतना वा छापतना किते चूक जाल्या, तें तुमी 'कुळागरांत' उजवाडायल्यार बऱ्याक पट्टलें. म्हज्याय जायत्या लेखांत छापखान्यान चुको केल्यात. हाज्याफाटीं अर्थाचो अनर्थ जाल्लो आसा.

'जे कोण आज कोंकणीत बरयतात ते खैंचेच शाळेंत कोंकणी शिकूंक नात– म्हणटकच तांकां कोंकणी वाचूंक आनी बरोंवक येना (भावार्थान)' हें तुमचें वाक्य वाचिनाफुडे' हांव लेखक म्हणून खैंच्या पावण्याचेर आसां ताची साधारणशी कल्पना येवन कच्च जालें. भावार्थान म्हळ्यार खऱ्या अर्थान, शास्त्रशुद्ध वा पद्धतशीर अशेंच मू ? काय तुमी ह्या उतराचो आनीक वेगळ्या अर्थान उपयोग केला ? म्हज्यासारक्या लेखकांक सगळ्याच अर्थांनी कोंकणी वाचूंक आनीक बरौंक येत, अश तरेचो कितेय उपाय तुमी सुचैल्यार खूब बऱ्याक पट्टलें अशें म्हाका दिसता.

हांव सांगतां त्या नियमांप्रमाणें हांवलेगीत बरैना हें दाखौन दिवंक तुमी म्हज्याच लेखांतलीं कांय उतरां तुमचें प्रतिक्रियेंत दिल्यांत. हांवें शुद्धलेखनाचेर जो पैलो लेख बरैला, तांतुतल्या सगळ्या मज-कुराची तुमकां सारकी याद न उरिल्ल्यान तुमचो अपसमज जाला आसूये. कित्याक म्हणटा जाण, त्या पैल्या लेखांत हांवें सांगलां, कि म्हज्या संशोधनाक हेर जाणकारांची मान्यताय मेळटकूच हांव त्या संशोधनाचो उपयोग म्हजे बरपावळींत करतलों. देखूनूच हांव अजून पुरतें शुद्ध बरौंक लागूंक ना. सामक्योच सोसूंक जायनात असल्या चुकांची चूकून म्हणटात तशी हांव केन्नाय दुरुस्ती करून बरैतां. पुण सगळो मजकूर शुद्ध जावचो न्हय, हाजी जतनाय घेतल्याबग

हांव शुद्ध बरौंक न लागचेलें आनिकूय एक कार
हांवें अभ्यास करून देवनागरी लिपिविशीं जे निष्कर्ष का
बिनचूक आसात अशें म्हाका दिसलें जाल्यारूय ते तशे
म्हणपाची खात्री दिवंक मेळना. ते निष्कर्ष हेर जाणकारां
घेवचे पैलींच हांवें तांचो उपयोग केल्यार 'कोणूय म्ह
काडचोना मू ?' हो हुसको म्हजी फाट सोडचोना. म्हा
आसल्यार त्यो कोणेयतरी दाखौन दिवच्यो आनी त्यो निव
हांवें हुसक्यामेकळो जावन शूद्ध बरौंक लागचें, ह्या विच
इतलीं वर्सां वेळ काडीत आयलां.

हांव शुद्ध बरैतां अशें हांवें केन्नाच म्हणूंक ना. आ
मेळून एकाच बरोबर आनी एकेच तरेन शुद्ध बरौंक लाग
हांव सांगत आसां. म्हज्या ह्या विषयावेल्या दर एक
'आमी अमकी दुरुस्ती करूया; तमकी चूक अशी अशी नि
अशा अर्थाचीं वाक्यां आसतात. हांवें शुद्ध बरैलेलें जा
'आमी, आमी,' कित्याक म्हणटलों आसलों ? म्हा
'तुमी, तुमी म्हणूंक येना हय तर ? ज्यो चुको हांवें केन्ना
ना आनी फुडाराक करचेलो ना, तांचेर बरैता आस
'चुकणाऱ्यांनी आपल्यो चुको निवळावच्यो' अशा अर्थाचो
हांव घालतां; ना असो न्हय.

'कुळागराच्या' डिसेंबर ८४ च्या अंकांत हांवें शु
म्हत्वाचे ६ नियम दिल्ले आसात. दर एका नियमाफाटो
फोडणिशीय दिल्या. ह्या मुखेल नियमांचेर कांयच बरैनास
फोडणिशितल्या सामक्याच थोडया मुद्यांचेर आक्षेप घेतल्या
लागून म्हजो गोंदळ जाला. आक्षेप घेवन उरिल्लो सग
तुमकां बरोबर दिसता काय कितें तें म्हाका नक्की समजना
म्हज्या नियमांतले खैंचे नियम तुमकां बरोबर दिसतात,
दिसतात वा खैंच्या नियमांतलो खैंचो वांटो बरोबर आनि
दिसता, तें तुमी कुळागरांत कारणांसैत बरौन म्हाका
दवरचो अशें केलें म्हणटकच त्या नियमांवेली आनी फो
तुमची पुरती प्रतिक्रिया म्हाका समजतली; खरेल्योच चुको
जाल्यार तांची जाहीर तरेन (म्हळ्यार लेख बरौन) दुरुस
मेळटली. तुमचो फुडलो लेख वाचूक मेळसर फब्रुवारीच
तुमी घेतलेल्या आक्षेपांचेर हांव कांय बरैना. जें कितें ब
तें सगळें एकाच लेखांत बरैल्लें बरें. ह्या पत्रांत हां
बरैलां, तें वेगळ्या मुद्यांचेर; अशुध्दलेखनाचेर न्हय.

बरें मानून,

तुमचो नम्र,

वि. ज. उसगांवकार

यादिंचे सोदी

— रमेश भगवंत वेळुस्कार

जे कोण नकळो ! पणजे लागीं जायते गांव आसात. माडांनी धापलेले. दोंगरांखाला पांचव्यांचार झाडांनी हांय दर्यांच्या वेळांर सावशेल्ले. कांय न्हंयांच्या देगांचेर बसलेले. म्हजो गांवूय असोच. माड, आंबे, पणस, पिंपळ, ो, जांबळी आनी चिंचाच्या तशेंच केळीनी गर्दी केल्लो मदीं मदीं गांवठी नळयांचीं घरां, मातेयच्या पाऱ्यांचीं. मुखार आंगण चड करून शेण बीण काडून नितळ केल्लें. ठस. घराकुशीक माड ना जाल्यार आंब्या वा पणसाचें अेकाद्रो माड कोणाच्याय घराच्या नळयांचें पाखें फोडून ून घोलतना दिसता. घरा मुखावयल्यान वाट. चड करून न मागिलदार. घरा कुशीक व्हडप. व्हडपाक अडशाचीं वटेन केळयांचें बेट, चड करून सालदाटीं. व्हडपांत अेक तोप ना जाल्यार मडकी. न्हावच्या खातीर हून अुदक पतालें. अशा ह्या व्हडपांतले सुवातेचें पोरसूं जातालें. लांची झाडां आसतालींत. आबोली नासताना अेकूय पोरसूं खंय शेंवती– मोगरींय आसतालीं. गावांतल्या चलयांचो गांचो दोळो ह्या फुलांचेर आसतालो. मागीर कोणाल्या रां तर कोणाल्या आंतेरा; कोणाल्या पोरसांत बेल तर सिताफळां. पेरांबिरांचेर आमची नदर आसताली. असो हो न नटलेलो म्हजो गांव. सांवळें सासायेन रंगलेलो म्हजो च्या गूंज धुल्लाची तांबडी वाट मोडत मोडत म्हज्या . आनी मोडत मोडत ल्हान व्हड चडटचो काडीत दुसऱ्या ता.

पणजेच्यान आगशी वचपाच्या रस्त्यार जंय बांबोळी ी दॆंवपाक लागले कि कच्च करून सैमाची सुंदरकाय र येता. एकदम मुखार संथ व्हांवपी जुवारी न्हंय ते हाताक अेकदम पयस नदरेंत भरता ती पिलारच्या ची आसलेली ओडलायणी सेमिनार. त्या दोंगरा मुखार शेतां, खाजनां आनी आगर. वत्रां थिकां कशे चकचकपी दीं मदीं पांचव्या सैमाची शिरंङराय. तांच्या मदल्यान गाळ अुत्कान भरून वळत वळत वचपी मन–भुलायणी ाय आयल्यान अेकदम नदरेसकल दिसपी कांय घरां... ांवठी नळयांचीं, माडांच्या कोळबांतल्यान, वा झाडांच्या जाच्या पावलांक थार ना अशा सळसळपी पिंपळाच्या न झळकपी घरांचो हो गांव... म्हजो गांव. आनी ह्या ाक आपल्या गच्च गोपांत घेवन रावल्लो हो दाट लेलो दोंगर... म्हणजेच पाळेरान आनी हो गांव पाळें...

जेन्ना तुमी चलतूच पणजेच्यान येतात तेन्ना दाव्या हाताक अेक पाज्ज गावता. ती पाज्ज तुमकां पाळयांत व्हरून सोडटा. ना जाल्यार तुमी दॆंवती दॆंवता आनी जंय ती सोंपता थंय दाव्या हाताक अेक तांबडो रस्तो भितर सरता. हो मडडांमदल्यान वळत मोडत गांवांत वयता. हालींच ह्या रस्त्यान आपल्याक बिरेव माखोवन घेतला आनी घट जाला. पुण आपल्या तांबड्या धुल्लाचो घागरो अुबयत नाचपाचें आदलें बळ ओगडावन बसला. म्हाकां याद जाता तें ताचें आदलें रूप. ताचे वांगडा चलपाक लागतकूच आपल्या रंगाची जाणीव करून दिवपी... तें आदलें रूप.

गावांत जंय भितर सरतात थंयच अेक बांय आसा. आनी भाग्याची गजाल म्हणजे हे बांयक नांव आसा. हे बांयचें नांव पाद्रिली बांय. हिका पाद्रिली बांय कित्याक म्हण्टात जाणात ? आता फाटले वटन पळयात. कितें दिश्टी पडलें ? अिगर्ज मूं ?... ही शिरदोनची अिगर्ज. पुण ती आसा मात पाळयांत. संसार भरच्या लोकांक मडगांव, वास्कोच्यो ना जाल्यार पणजेच्यो बसी शिरदोन... शिरदोन म्हण जंय दॆंवयतात तें खरें शिरदोन न्हय, तर तें पाळें. तें अिगर्जेंत रावपी पाद्रिचें हें बांयकडें कितें नातें आसा तें खबर ना. पुण हिका म्हण्टा मात पाद्रिली बांय.

हांगासर जंय बशी मोटरां थारतात थंय दोन चार हॉटेलां आसात. ल्हानसो बाजार भरता. नुस्त्याचो– भाजी पाल्याचो. सांजवेळचे चार पांच वरांचेर चा मारपाक म्हण गांवचे लोक हांगा जमतात.

हांगासर जरी शिरदोन म्हण्टात थायलो लोक पुण गांवचे लोक हे सुवातेक वेगवेगळ्या नावांनी वळखतात. कोणा हांगासर कपेलाकडें म्हण्टात तर कोण शापार. तर कोण तारीकडें म्हण्टात. कांय लोक सांवकार म्हण्टात. हांगार पाळयाक जुवारी मोरगाद गांवाक जोडपी पूल आसा ह्या सांकवाचें सांवकार जालें...

हे सुवातिची वेग-वेगळी नावां आयकून म्हाकां मनशांची याद जाता. तो अेकटोच पुण ताका नावां वेगवेगळीं. कोण ताका पूत म्हणटा, कोण भाव कोण बापूल भाव, कोण मावशे भाव, कोण नातू कोण पण्टू... कोण घोव, कोण जांवय... अशीं जायतीं.

हो हांगचो रस्तो म्हणचे रहदारीचो रस्तो. आनी पाद्रिली बांय म्हणचे भुरगे पणांतली आमची शीम. हाचे मुखार आमी गेल्या म्हण घराकडें कळ्ळा जाल्यार आमकां मार पडला. भुरगेपणांत हांगा येवप म्हटल्यार भिरांत दिस्ताली. पुण येवपूय जातालें. कारण हांगा अेक बोर आसली. बोरीचीं बोरां आनी गांवची पोरां हांचे एक दाट नातें आसता. म्हण्टकूच हांगा येनासतना कशें जावप ? तशें रस्त्या मेरेन वचपाचें धाडस मात जायनासलें आनी गरजूय नासताली

म्हणा. पुण कांय मनशाक हांव रस्त्यार गेल्यार म्हाकां मार पडटा हें खबर आसलें. ते म्हाकां बेश्टेच भेश्टायताले. तांचीय वगीच भिरांत दिसताली.

तशें हे सुवतिक आनीकूय महत्व आसा. गांवांत जागर–जात्रा, अित्रूज शिगमो जांव हेर उत्सव अशें कितेंय जालें जाल्यार सयरे धायरे येतात. तांची वाट हांगाच रावून पळोवप, तांका वयतना पावोवपाकूय हांगाच मेरेन येवप. गांवातलें कोणूय जेन्ना पंढरपुराक बी वयतालेत तेन्ना तांका पावोवपाक गांवचो लोक अेकठांय जातालो आनी भजन करीत तांकां बांयमेरेन पायतालो. तशेंच परत येतकूच हांगासरल्यानूच भजन करीत ताळ पखवाजांच्या गजरांत मिरयूत तांकां गावांत घेवन येताले. अशा वेळार हे सुवातेचे महत्व आगळेंच जातालें. यात्रा करून येवपी लोक आपापल्या लोकांक वेंगो मारतालेत. केन्ना केन्नाय खूब तेपान मेळटा हें येवजून रडटालेत. अशा वेळार बुक्यान व्हा पिंजरीन भल्लेलीं लोकांची कपलां पळयत ही सुवात मनांतल्या मनांत धादोसताली.

आतां आमी हांगासरल्यान भितर या. गांवांत. वाटेक मडडां लागतात. जुलै ऑगस्ट म्हयन्यांत जेन्ना पांचव्या चार शेतां मदल्यान ही वाट बेगीन बेगीन वयता तेन्ना हे वाटेचो ज्ञेत सांगपाचो न्हय. कडेकुशीक हरयाळी माडयत ही वाट वयता. दनपारच्या वेळार मात ही थंय अुबी रावना. शेतांत येतल्या शेवण्यांच्या भिऱ्यांक पळयत ना जाल्यार देंवते वयल्यान देंवपी गाडयेचो चडटो वा देंवतो आवाज पारखीत.

ऑगस्टाचे २४ तारकेक पाळयांतलो चडसो लोक ह्या शेतानी नवे ' व्हरपाक येतात. नवे ' म्हटल्यार नवे ' पीक, नवी ' कणसां, सकाळीं न्हावन धुवन खांदार तुवालो, कपलाक गंध हातांत पानाचो विडो, ताचेर गंध, फूल आनी अुजवात घेवन हांगा येतात. मागीर यामांत भितर सरून पिकेची कणसाची पूजा जाता. मेणाक लायल्ले सुरयेन वा कानेतीन तो पांच कणसां घेवन येता. घराय कणसाची पूजा हे दीसा नव्याक कालयल्ल्या फोवांचो निवेद्य जाता. घरा घरान लोक फोव खातात. अुदक नासतना फक्त गोड आनी सोय घेवन कालयल्ले गोड गोड घटघट फोव खूब बरे लागतात. दाडवणांकूय फोव खाल्ल्याची जाणीव जाता.

मदीं अेक गजाल सांगपाची विसल्लों. सकाळचीं सात आठ, णव मेरेन चल्लेलें हे चित्र पळोवपाक खूब्ब बरें दिसतालें. आमगेर हे ' नवे ' चवथिचे पंचमी दिसा जाता. ह्या दिसाची एक खाशेली गजाल. म्हजो अेक अिश्ट शेतांत विडयां वांगडा दवल्लेलो पयसो दोन पयशे सोडून हाडटालो. मागीर ह्या पयशांची पसऱ्यार मजाच मजा जाताली.

केन्ना केन्नाय ह्या शेतानी, भुरगे अेकठांय जातकूच नाचपाचो कार्यक्रम जातालो. वाऱ्यावांगडा शेत सळसळटा. भुरग्यांकूय शेतांत नाचपाची कूय येता. मागीर अेकटो दुसऱ्याक धुकलून शेतांत अुडयता. मागीर तिसरो चौथ्याक... करतां करतां सगळे थंय पडटाले शेतांत जाल्लें हें शेताकडलें मिलन.

पांचव्या शेताचीं
कणसां धोलय रे
कणसां धोलय

ह्या सारक्या कवितांचो जलमय असोच नाचत[illegible] जातालो. गांवांत येतां येतां दाव्या हाताक अेक होंडे[illegible] आमोरेच्या संधीवेळार हांगासर आगळो वेगळो वास येत[illegible] दादा वा गांवचे हेर जाणटे सांगताले कि ते वेळार ख[illegible] अश्वत्थाम्याची सुवारी वयता. आयजूय जेन्ना जेन्ना आम[illegible] ह्या व्होंड्याकडल्यान पासार जातां तेन्ना पुडयो फुलोवन[illegible] काय पळयतां. ना. तसो वास येना.

मात्शें फुडें चलतकच लागता तळी. पावसांत अु[illegible] वयतकूच हांगा न्हावपाक मजा येता. झाडाचे तेंगशेर रा[illegible] मुडे घालतना रगत कशें सळसळटा म्हण सांगूं ! पंच[illegible] गांवांतले १०० गणपती हांगासर तळयेर बुडोवंक[illegible] भजनाच्या स्त्रोतांत नाचत येवपी गणपतींचे चित्र या[illegible] आंग शिरें जाता.

रस्त्यार अुबो रावन तळयेक पळयत रावल्यार अुत्[illegible] लांब रूखांच्यो सांवळयो पडटात त्यो दिश्टी पडटा.. तळ[illegible] हालले कि त्यो हेंवाळचावरी चलपाक लागतात.

आतां फाटल्यान पळयात. हो जो वाडो दिस[illegible] डिव्वार म्हण्टात. खरें म्हटल्यार हें देवळार. हांगा [illegible] गणपतीचें देऊळ आसलें ताचेकुशीक वाडो आसलो कलवंत[illegible] आतां तें देऊळूय ना आनी वाडोय ना. आतां जो वाडो [illegible] गल्या २०–२५ वर्सां फाटीं निर्माण जाला.

चला आतां फुडें या. हें मोडण. ते पयलीं [illegible] काळासावन जगत आयल्लो घोडूक पळयात. गावांतले[illegible] जाण्टेले सांगतालेत कि तांच्या म्हालगडयांनी लेगीत ह[illegible] असोच पळयल्लो म्हण. हें मोडणार आसलेलें जीन. ज[illegible] कुळागर. अशेंच चलपाक लागतकूच दिसता ती देवळाची [illegible] पयलीं सांगतां अेक गजाल. सकल जिनाच्या कोणशार प[illegible] पळयलो पत्रो म्हणजे खोलयो. ह्या खोलयानी खंय गां[illegible] सांतेर लिपल्या. आयजूय गांवचो लोक लग्नां कार्यांक [illegible] दवरतात. चला आतां हें आमचे सांतेरेचें देऊळ. तुमी दे[illegible] पडात. देवीचे दर्शनाक कोणूय येतकूच भट देवीक सांगणे [illegible] भट मुर्वेक देवीचें स्तवन सुरू करतालो.

नमो देव्यै महादेव्यै शिवायै
सततं नमः ।
नमः प्रकृत्यै भद्रायै नियतः
प्रणता : स्मताम ।।

आयज जरी देव हे गजाली वयलो तसो विश्वास न[illegible] देवीच्या देवळांत गेलों कि हो श्लोक म्हज्या शिरंत्रानी [illegible] घुमपाक लागता.

हो म्हजो गांव. पत्र्यांत लिपलेले सांतेरेचो गांव. [illegible] ताचोय जाणे कोंकणी सात समदिरां भायर पावयली त्या[illegible] पंडिताचोय.

मेकळचा वेळार हांव जेन्ना जेन्ना चितूक लागतां [illegible] फाटीं वचून यादिच्या सोदीक लागता. चल मना चल[illegible] यादिच्या सोदी...

नकुराद आंबे आयल्यात; सवाय !

— गुरुनाथ केळेकार

Tयर सरनाफुडें घरकान्नीन म्हज्या हातांत नुस्त्याची
ो आनी सांगलें– ‘ आज कोण ना. सुंगटां हाडल्यार

ांत सप्तकांतले स दीस ती आनी हांव भुरगीं परगावांत.
अेक वांटो आमकां चड. पुण अर्द मेळना म्हण सगळो

त्या–बाजारांत भितर सरताना जिनसांवार फळांत आंबे
र बी मानकुराद. बाजारांत तसो गोंयांभायलो खूप आंबो
ुण मानकुराद पयलेच फावट पळेलो आनी पांय थांबले.
ात जाले. मुखार आंब्याचीं दोन पाटीं घेवन अेक गावडी
अेकांत भायले आंबे आशिल्ले तर दुसऱ्यांत गोंयचे
!

ानकुराद ?’ म्हज्या तोंडांतल्यान अुतरां भायर सल्लीं.
?’ हांवें तिचे मुखार अुबो रावन विचाल्लें. तिणे म्हजे-
लेंच ना. चिकू विकतले शेजान्नीकडे ती अुलयत रावली.
क हांव बाजारांत येवंक ना हाचो वास तिका आयलो
ांवें तिका परत प्रस्न केलो ‘ कशे ग ?’

जान्नीकडेन अुलयतानाच तिणे म्हजेकडेन पळेनासताना
धा रूपया अेक. ’

रूपया अेक ? हांव जयचे थंय आं करून अुल्लों. पुण
हांवें म्हाका सावल्लों. म्हज्या पुरुषत्वाक तिणे आव्हान
न म्हाका जालें. म्हज्या बोलसांतल्यान अेक धांचो
न तिच्या मुखार वावुडचो आनी वाटपण करिनासताना
बो दी ’ अशें सागून तिचेर ‘ अिंप्रेशन ’ मारचें अशें म्हाका
ुण रोखडोच हांव शितिदार आयलों अेक आंबो घेवपांत
लाचें ‘ अिंप्रेशन ’ ? त्याभायर सुंगटां हाडूंक बायलेन
डिल्लो. धा रुपयांचो आंबो न्हय.

व थंयच्यान कडसल्लों, मुखार सल्लों.

X X X

खरें म्हळ्यार हांव फाटीं पाविल्लो. आमच्यां गांवांत.
चेचाळिसांत हांव तेन्ना भुरगो. आमच्या चवगां–घरांत
र पांच तरी देवकारीं जातालीं. देवकारीं म्हण्टकीर
आसताल्यो. गांवांतलो बारीक मोटो लोक आमंत्रणान
येतालो. चारुय चवक्यांचेर दोन–दोन तीन–तीन
टाल्यो. ह्या समरादनांत आंब्यांची म्हण अेक समरादना
ह समरादनेक दर एका पानार चार–चार पांच–पांच
तरेकवार आंबे पडटाले. चारशीं पांचशीं जाण जेवताले. चवगां-घरांत आमी धा–वीस भावणां, पानार बसना फुडें आमच्यांत आंबे खावपाचो सर्त लागतालो. जण अेकलो खेपेक धा–धा पंदरा–पंदरा आंबे खातालो. ‘ खायात खायात, आंबे माल पडनात…’ जाण्टे आग्रो करताले. आनी तें खरें म्हणपाचें दुसऱ्या दिसा सकाळीं कळटालें.

तो काळ खंय आनी आयचो काळ खंय ? तेन्ना आंबे शेकडयांच्या कोंतान विकताले. शंभरांचेर फाडयाचे पांच-धा मेळटाले. हालीं हालीं म्हळचार, पुर्तुगेजाच्या वत्या काळार आठ–दहा रुपयांक शंभर आंबे मेळटाले. ते पाखले गेले आनी ते आंबेय गेले !

पंडित नेहरूंनी देशांत दशमान पद्धत सुरु केली. सगळचो वस्तू दसकानी, किलोनी, लिटरानी मेजूंक मापूंक लागले. पुण आंब्यांक ती पद्धत लागलीना. आंबो फळांचो राजा म्हण जावये ! राजाक कायदो लागता ? आंबे डझनानी विकूंक लागले. जो शेंकडयाक दर सांगताले तो डझनाक लावंक लागले. आनी आता तर शेंकडयाचो दर एका आंब्याक ! आंबो धा रुपया एक !

X X X

मार्केटान वचून हांवें सुंगटांचो वांटो घेतलो आनी आंब्या-कडेन पळेनासताना नीट घरा आयलों. पोती घरकान्नीच्या हातांत दीत म्हळें– ‘ बाजारांत मानकुराद आंबे आयल्यात. खूप म्हारग ! धा रुपया अेक !’

‘ धा रुपया ? जाल्यार सवाय म्हणूंक जाय !’ बायल अुदगारली.

‘ डझन न्हंय, अेक ! धा रुपया अेक आंबो ! ’ हांवें तिका जाग हाडपाचो प्रयत्न केलो.

‘ खबर आसा, ’ तिणे म्हळें, ‘ तूं बाजारांत आजुच गेला, पयर बाविस रुपया अेक आशिल्लो ! ’

‘ कितें ? बाविस रुपया अेक आंबो ? कोण घेतात तर ते ?’

‘ कोण म्हण आसा ? घेवपी आसात तशे विकतात ! ’ बायलेन म्हाका जाणटेपणांत वेव्हाराचो पाठ शिकयलो आनी फुडें म्हळें– ‘ घेवपी जायते आसात. लोकाकडेन पयसो कुसता ! ’

हांव थड अुदकाच्या बुडकुल्याकडेन गेलों आनी म्हज्या त्या अपुर्बायेच्या फ्रिज्यांतलें पेलोभर थंड अुदक पियेवन थंड जालों.



अणभव

सांजवेळ देवंक लागली तशो रूखांच्यो सांवळच्यो लांबचे लांब पातळूंक लागल्यो आनी दाटून येतल्या तीनसांजच्या काळखांत भरसूंक लागल्यो. कस्तुऱ्यान हातांतलो विळो कमराक खोयलो आनी शेतांतल्या चिखलांतल्यान वाट काडीत तें बांदार आयलें. तागेलें सगळें आंग चिकचिकीत चिखलान भरिल्लें. तशेंच तें न्हंयचे देगेर आयलें आनी चोंय वशीन नदर भोंवडावन लागसाराक कोण ना म्हणपाचें पळोवन घेवन ताणें विळो निवळ धुवन घेतलो. मागीर सवकासायेन आपलें न्हेसण सोडयलें आनी खीणभर आपलो टवटवीत देह आपुणच तोखेत रावलें. आपले कुडीचे सोबितकायेचेर तें भाळ्ळें आनी एकाएकी कांचवेवन न्हंयच्या पात्रांत देंवलें.

णव म्हयने भरिल्ले. खंयच्याय खिणाक वेणो येवन भुरग्यालें रडें कानार पडून सगळ्या त्रासाचें गोड फळ पळोवंक मेळूं येतालें. आज दीसभर पोटांतल्या भुरग्यान हालयिल्ले हातपांय ताका कातकुतल्यो करताले. काम करता आसतना लेगीत खीणभर दोळे धांपून तें भुरग्याल्या हुतहुतेपणाची लक्तुबाय करतालें तो सुखदिणो अणभव आतां ताणें पर्थून घतलो. सगळ्या आंगांतल्यान एक खोशयेचो थरथरो देंवलो. भरिल्ल्या पोटाक संथ व्हांवत्या हून उदकाचो स्पर्श जालो आनी न्हंयचे पात्रांत उबे राविल्लेकडेनच ताजें सगळें आंग चंवरलें. दोळे धांपून घेवन तें धोलूंक लागलें.

नेतल्लेच्या दाट रानांतल्यान मंद व्हांवतलें न्हंयचे उदक तागेल्या पोटाक कातकुतल्यो केलेबगर फुडें सरकना आसलें. दोनय देगांचेर दाट झोपा आनी तांच्या फाटल्यान रूखांचे रान. दनपारच्या कडार लेगीत वताचीं किर्णां जमनीर पावनासलीं. उल्याच्या अंतराचेर गांव. गांवांत पांचपंचवीस घरां. बाळंटेराक कुळारा आयिल्लें कस्तुरें सकाळीं शेतांत काम करूंक भायर सल्लें तेन्ना तागेंले आवयन ताका चड तकालस घेवची न्हय अशें सुचयिल्लें. पुण जातासर काम केलें जाल्यार आईलो भार तितलोच ल्हव जातलो अशें
नाय जाल्यार ल्हानपणांत सावन कांबाडकश्ट
कस्तुऱ्याच्यान गुरवारपणांत लेगीत ओगी बसून
आतां न्हंयत देंवून आंग धुता आसतना मात ताका
मात्शें न्हिदचें अशें दिसलें.

दिवे पेटोवपाच्या त्या तीन काथीर रानांत
थंडाय पातळिल्ली. पयस खंय तरी काजुले
रातकिडेय कर्कश सुरांत रडूंक लागले. कातरिल्ल्या
परमळ वाठारांत पातळ्ळा अशें ताका दिसलें
बुचकळी मारून वयर वचचें अशें ताणें थारायलें.

अचकित पयसुल्यान एक गरड ताज्या काना
गेल्लें उदक ताणे तकली हालोवन भायर सोडलें.
काय ताका तसो भास जाल्लो ? पुण दुसऱ्याच
झोपांतल्यान आवाज आयलो. वाघान आपलें मूं
ताका पळोवन घेतलें. तागेले भयांकृत दोळे चक
उंचावन ताणे परथून एक गरड घाली. ती
भिरांतेन थरथरूंक लागलें... सगळीं गात्रां गळून
दिसलें. ताजें रगतय गोठून गल्लें. ते अव
दोळ्यांमदीं उदेल्ले फिकट उजवाडाचें पडबिंब तें
आतां मर्णाची घटका लागीं पावल्या... वाघा
मुखार उब्रो आसा. ' देवा ! जाय जाल्यार वा
खावंचें; पुण म्हज्या पोटच्या जीवाक तूं वांचय '
ताणें मागलें.

वाघान न्हंयच्या उदकांत उडी घेतली.
कडो कोसळिल्लेवरी आवाज जालो आनी उदक
अर्धांगवायूचो धक्को आयिल्लेवरी कस्तुऱ्याची
ताज्या पायांतलें त्राण सोंपलें; गळो सुकून आयलो

ळो… तो धडधड ताका आयकूंक येतालो आनी ताजें
ाउदका भायर पडिल्ल्या नुस्त्यावरी थरथरतालें… छे !
ां आयकून आज घराच रावंक जाय आशिल्लें… खंयची
ाजली अशें ताका जालें.

पेंवत वाघ कस्तुऱ्यामह्न्यांत आयलो आनी एकाएकी
मात्सो फुडें सल्लो आनी कस्तुऱ्याक पळयत रावलो.
ानीय हातांनी तोंड धाकून घेतलें आनी दोळे बंद करून
वाट पळोवंक लागलें. … खीण… दोन खीग… तीन
ायच घडलेंना. ल्हवूच ताणें दोळे उक्ते केले. अजून वाघ
. आपले दोळे किलकिलावन तो ताका पळेतालो. वाघ
ानी ताणें आपली शेपडी वयर काडून हालयली…
प्राण कंठाक तेकलो. निचेश्ठ जावच तें ताका पळयत
ाच्या दोळ्याक दोळे दिवपाचें बळ ताज्यांत नासलें…
ांत जालो… पोर्ने इश्टाची वळख करून घेवपाचो यत्न
नशासारखो वाघ ताका पळयत रावलो. तागेल्या ते नदरेत
उदेल्लें कस्तुऱ्याक दिसलें…

ख दाटत वतालो… मळबांतल्या पातळ कुपांआड एकाद्रें
वकूक लागलें. सात आठ फूट लांबायेचो आपलो देह
ळसाविल्ले भशेन वळयलो. आनी एकदम तो फाटीं
कतें घडलें हे समजुचे आदींच वाघ नाच जालो.

ाकडेन अंदल्लो स्वास कस्तुऱ्यान सोडलो. आपुण जिते
ताका खरेंच दिसना ! वाघ ताका आफडूंक लेगीत
हें घडले कशें ! एक क्रूर जनावर ! मनशाच्या रक्ता-
ल्लें डरता असलें रानटी जनावर… तें एकलेंच आस्तना
ेता आनी अचकित पळून वता म्हळचार अजापच. पुण
डिल्लें. ताणें ल्हवूच आपल्या आंगावेल्यान आनी उपरांत
हात भोंवडायलो. पोटांतल्या भुरग्याचें थांबिलें हालप–
न सुरू जालें, ताका सू जालें. अेक बूचकळी मारून तें
देगेर आयलें, आंग पुसना आस्तनाच देगेवेलें न्हेसण
आंगार गुठलायलें आनी धांवत पळत आपलो जीव
ालो.

येतगच घडिल्ली गजाल ताणें आवयक सांगली, ती
ावयक घुंवळ येवपाची. आवयन थंयच जमनीर बमकण
ी आपला अुडिल्लो आवरो सांवरून घेतकर तिणें दयेची
ल्या देवाचे उपकार आठयले. चडवेळ तिज्यान घरांत
ालें. ती उठून भायर गेली, आनी आपलो मीठमसालो
चमत्काराची गजाल शेजाऱ्नीक सांगली, खिणभरयांत
खबर पावली. गावचे सगळे लोक भियेवन कस्तुऱ्याले
ले. बायलांनी भुरग्यांक घरांत धाडलीं आनी दारां बंद
ल्या गांवांचेर भयाची सांवळी पातळळी ! दादल्यांनी
यांत व्हला आनी गोठयाच्या दारांक वाशांच्यो कवडयो
ल्यो, कशेंय करून त्या खुनशी वाघाक जितो मारूंक
गळे उलोवंक लागले.

कस्तुरें हांतुणाचेर अर्द युद्ध वगडायिल्ले अवस्थेंत न्हिदिल्लें
गांवकार ताजेसरीं आयले आनी घडिल्ले गजालीच्यो बारीकसाणी
विचारूंक लागले. वाघ केदो आशिल्लो ? खंयच्यान आयलो ?
खंय गेलो ? … हे लोक वाघाक धेरून जितोच मारतले हो विचार
लेगीत कस्तुऱ्याक सोंसना जालो. ताणें हातचें राखूनच जापो दिल्यो.

'देवानच म्हज्या पोराक वाचयलें ' आवयन म्हळें.

' पुण फुडले खेपेक देवाच्यान लेगीत वांचोवंक जावचें ना…
वाघाक एके फावटी मनशाच्या रक्ताचो वास आयलो म्हणटगीर
तो पिसाळटा ' कोणेंतरी म्हळें.

' आयचे आज ताका मारून उडोवंक जाय. नाजाल्यार सगळे
गांवांक भिरांत उरतली ' दुसऱ्यान म्हळें.

' हय आमच्या बायल भुरग्यांची, गोरवां पाडकाची राखण
करूंकच जाय. '

खूब वेळ भासाभास जाली मागीर एक पंगड तयार जालो.
बडयो, कोयत्यो, कुराडी, आर्मां पुंजायली. आनी सगळे रणांगणांत
धांवन गेले.

कस्तुरें काचावूल जालें. ताजी छाती धडधडूंक लागली. सगळें
आंग शिरशिरूंक लागलें… आतां जोर येतलो अशें ताका दिसलें.
ताणें गोजडी घट्ट पांघुरली आनी तें न्हिदून रावलें.

न्हंय दिकेन गेल्ल्या मनशांचो आवाज ताका आयकूंक येतालो.
अस्पष्ट जायत तो येना जालो… वाडोभर अेक भयांकृत थंडाय

दुकळे, भोबे आनी कंपनी

पणजी

▣ प्लायवूड ▣ सनग्लोस
❋ सेनिटरी वेअर आनी ▣ ग्लेझ्ड तिजुले

When you plan bathrooms to last a lifetime. beautifully.



मडगांव–शो–रूम

सॅनी–प्लाय सेंटर मडगांव

पातळली. वाऱ्यान झाडांचीं पानां सळसळलीं जाल्यार लेगीत सगळीं जाणां आंग काडटालीं. कस्तुऱ्याच्या पोटांत कळा येवंक लागल्यो... दोनूय हांतांनी पोट दामून धरून तें न्हिदून रावलें.

‘ ही रात मर्णाची... बाये... अेके फावटी वाघ मेलो म्हण्टकच सुटलीं.’ ताजे म्हऱ्यांत बसत आवयन म्हळें,

‘ वाघाक मारूंक फावना.’ कस्तुऱ्यान म्हळें,

‘ तें कशें जातलें ? वाघ गांवांत येवचे पयलींच ताका माल्ल्यार आमी वांचतलीं.’

‘ इतले लागीं आशिल्लो तो आई... अेक दावकूल माल्ल्यार लेगीत हांव मरतले आसलें... पुण तो म्हाका आफुडलो लेगीत ना... तागेले खुनशी दोळे लेगीत कितले मायेस्त दिसले.’

‘ पिशें गो तूं... तुका तशें दिसले.’

पर्थून कस्तुऱ्याच्या पोटांतल्यान कळ आयली आनी ते अेकदम उठून बसलें.

‘ कितें जालें कस्तुऱ्या ? ’

आपली कळ ओंठापोंदा दामून धरून कस्तुऱ्यान दोनी हातांनी पोट गच्च आवुळलें आनी म्हळें... ‘ कांय ना... मात्शें दुखता...’

पयस परांतराक आर्मींचो आवाज आयलो... दुसरा फार... कान भेदपी अेक व्हड गरड... कस्तुऱ्याचें काळाज चिरून गेलें आनी कळवळून तें किळचलें ‘ आऽऽवय गे ! ’

ताजें सगळें आंग हुमने चिप्प भिजलें...

‘ आई... ’

आवयन ताकतिकेन ताका आडवें केलें.

‘ आतां तूं बाळांत जातलें पोरा... हांव वै...
घाडटां... ’

रानन पेटोवन तिणे उदकाचो तोप रान्नीर ...

वैजिणीक रकाद धाडूंक तिणे दार उकते केलें. ...
बोवाळ तिजे कानार पडलो. अेक तर्नाटो मोठमो...
येतालो. वाघ... माल्लो. दोन फार माल्ले... आनी ...
खबर आयकूंक सगळो वाडो घराभायर आयलो.

कस्तुऱ्याच्या आवय म्हऱ्यांत तो पावलो ते...
आडायलो.

‘ अेक काम करशीत ?’

पुण धापेत खर्शेत तो तर्णाटो उलयत राव...
मावशे ? तो वाघ नासलो... वाघीण आसली वा...
पोटांतल्यान दोन पेटे भायर सल्ले... दोगूय जि... आ...
सोबीत... कितले गुलगुलीत !’

‘ गाभणी आसली देखूनच कस्तुऱ्याक आफुडली ...
अशें म्हणून आवयन ताका सांगलें, ‘ चल धांवत वच आ...
आपोवन हाड. कस्तुरे बाळंत जाता म्हणून सांग...’

भितर हांतुणाचेर सोसूंक नज अशा वेणांक ...
आडवें उदारे लोळटालें. तेय अवस्थेत त्या तर्णाटचा...
आयकल्ली... अेक करूण किळांच ताणें माल्ली... आ...
गे ! ’ अशें म्हणून तें घुंवळून पडलें.

The Mapusa Urban Co-Operative Bank Limited

Head office :
1, Vaishya Bhuvan,
Mapusa-GOA.

Estd. On : 9-12-1965

Telegrams : 'Nandadeep' **Telephone : 2427**

For higher rate of interest on deposits and all Banking Services
Contact our nearest branch.
At

MAPUSA
Phone : 2414

SIOLIM
Phone : 31

SANQUELIM
Phone : 33

CALANGUTE
Phone : 58

VELGUEM
Phone : 47

ALDONA
Phone : 25

ANJUNA
Sorronto

PANAJI
Phone : 4161

We help build your future !

योगायोग

– विमल सच्चित पै काणे

ाची मारीया कॉनव्हेंटांत बदली जाल्ली. त्या इश्को-
व्वेच्या 'अे' क्लासाची तें क्लासटिचर. ती भुरग्यां, तें
ळेंच लताक नवें. नवी टिचर पळोवन भुरग्यांय उमेदिन
लता क्लासाक आयलें 'गुड मोर्निग टिचर' भुरग्यालो
ड मोर्निग. सीट डावन' लताचो आवाज. लताचो आज
, अनोखळी भुरग्यां, लतान तांका नावां विचारपाक
. आनी विचारता विचारता तें मदींच थांबले. तिसऱ्या
पयल्या बाकावेल्या भुरग्याचेर ताजी नदर खिळोल्ली.
ुवर नेम ?' 'नंदू महाडेश्वर' भुरग्यान आपलें नांव

ा जाग्यार आता लताक अवि दिसुंक लागिल्लो हय
वी कार्बन कॉपी थंय उबी आशिल्ली. तेच घारशे दोळे,
तरतरीत नाक, उबी रावपाची स्टायल आनीक रंगय
महाडेश्वर' लता पुटपुटलें. आनी खुणेनच ताणे नंदूक
. ताणे नावा विचारपाचें काम अर्धकूटेंच उडयलें आनी
तक वाचूंक सांगलें.

ळांतले अेक अेक प्रसंग लताच्या दोळ्यामुखार येवंक
ा' घरंदाज घराण्यांतलें, आवयबापायलें अेकटे अेकसुरें,
वली. दिसूंक सुंदर, शिकूंक हुशार, आनी गुणेस्त भुरगें.
सुद्धा ताका गर्व नाशिल्लो. निकतेंच मॅट्रीक जावन तें
ीत वतालें.

अकस्मात तें घडलें. ताका अवि सापडलो. ताच्या गावांक निकतीच बदली जावन आयिल्लो बँकेचो मॅनेजर. तें नकळत अविच्या जाळयांक घुस्पलें. ताजें पावल वाकडेंच पडील्लें न्हय तर खोल रेब्यांन रूतील्लें. जें जावपाचें न्हय तें जाल्लें. लता फटवल्लें. जेन्ना लताक आपली चूक कळून चुकील्ली तेन्ना खूब वेळ जाल्लो. तेन्ना तें अविच्या भुरग्याची आवय जावपाच्या मार्गार पाविल्लें.

लताक तो दीस येवजलो. ज्या दीसा ते ही खबर सांगपाक अवि म्हऱ्यांत गेलें. लतान ही खबर अविक सांगली आनी अविकडेन लग्नाचो प्रश्न काडलो तेन्ना अविन म्हळें 'शी शी, लग्नाचें नांव काडू नाका. म्हज्या जिवीतांत असल्यो कितल्यो चलयो आयल्यो आनी गेल्यो. त्या सगळयांकडेन लग्न जाल्लो जाल्यार आज तांची संख्या... 'यू शट अप' लता तापलें 'लज दिसना तुका हें सांगुंक ? चलयो म्हळयार कितें खेळणी दिसतात काय किते तुका ? अेक मोडलें दूसरें घेतलें, दूसरें मोडलें तिसरे घेतलें. सांग विस्वासघातक्या आता हांव करू तरी किते ? इतल्या दिस म्हज्याकडेन मोगाचें नाटक केलें. उतरां दिलीं. आनी, हांव पिशें तुका भुल्लें. आतां हें काळे तोण हांव लोकांक दाखोव तरी कशे ?'

रडून रडून लताचे दोळे सामके सुजील्ले. हुंदक्यार हुंदके दिवन लता रडटालें. तेन्ना कुचित्तीपणांन हांसून अविन लताक म्हळें, 'लता तुज्या सारख्यो सत्यभामा ह्या भूयेर थोडयोच आसात. पवित्रपणाचो पदर पांघरून भोंवपी अपवित्रच बायलो ह्या भूयेर चड आसात. तेन्ना हांव सांगता ते तूं आयकय तूं... 'स्टॉप इट· तूं कोण म्हाका सल्लो दिवपी ? चांडाळ खंयचो.' अशें म्हुणून लता तुरतुरीत घरा आयलें.

लताच्या आवय बापायक ही खबर समजली तेन्ना खूब वेळ जाल्लो. लताची आवय पिशार पडपाकडेन पाविल्ली. बापूय काळ-जाच्या झटक्यान भायर पडलो. ह्या अवस्थेन लताक ताज्या सांग-लीच्या मावशेन आपल्यागेर व्हेलें. थंयच ताणें एका भुरग्याक जल्म दिलो. लताच्या दोळयांमुखार तें महाडेश्वर जोडपे उभें रावले. श्रीमंत घरंदाज जोडपें. तांका लग्न जावन सात-आठ वर्सां जाल्ली पुण भुरगें नाशिल्ले. ताणी मोठ्या उमेदीन लताच्या भुरग्याक आपणायिल्लो, पोसको घेतील्लो आनी लताक कुमारी मातेच्या संकटातल्यान मेकळे केल्लें लता आतां आपल्या गावाक परते आयिल्लें पुण ताका जिणेचो वीट आयिल्लो. ताणे लग्न न जावपाचें थारायिल्लें. अभ्यासावेलेय ताजें लक्ष आतां गेल्लें. वेळ पासार करूंक ताका कितेंयतरी करूंक जाय आशिल्लें– म्हुणून ताणे शिर्विस कर-पाचें थारायिल्लें. रोखडीच ताका टिचरीचो शिर्विस मेळलीय बी.

आज धा वर्सांनी ताजी ह्या गावांक बदली जाल्ली. हें सगळे विचार लताच्या मनांत चालू आसतना दुसऱ्या तासाची बॅल केन्ना जाली हेंच ताका समजलें ना. 'टिचर–टिचर बॅल जाली.' भुर-ग्यांच्या आवाजान लता भानार आयलें.

लताक ह्या इश्कोलाक येवन आतां पांच–स म्हयने जाल्लें. अकस्मात ते घडलें. नंदू महाडेश्वराक ॲक्सीडन्ट जाल्लो. इश्कोलांत येता आसतना एका वेगान येतल्या गाडयेमुळांक तो सापडील्लो. आनी नंदू आक्ताक खलास जाल्लो. हो ॲक्सीडन्ट इश्कोलाच्या मुखारच घडील्लो. नंदूचें रक्तबंबाळ जाल्लें प्रेत हाडून इश्कोलाच्या फुडें घाल्लें. लतान छीन्न विछीन्न जाल्ले नंदूचे प्रेत पळयले मात ताजे हातपाय सामके थंड पडले. ताका थंयच घुंवळ आयली. ते भानार येतगेर ताणे पळयले की ते महाडेश्वर जोडपें थंय आयिल्लें. त्या जोडप्यान रडून खूब आखांत केल्लो. ज्याच्या गाडयेपोंदा नंदू पडील्लो तो मनीसय थंय आयिल्लो. लताचीं नदर त्या मनशाचेर पडली मात ताजे दोळे सूडान पेटून उठले.

तो मनीस दुसरो तिसरो कोणच नासलो तर नंदूचो जल्मदातो बापुय अविच आशिल्लो. लताक दिसतालें खूब रडचें आनी अविकडेन बोट दाखोवन सगळयांक सांगचे की ' होच तो निर्दय, पातकी, विस्वासघातकी मनीस नंदूचो बापुय आनी, हांवच ती नंदूची दुर्देवी आवय. चलो म्हजो आसून सुध्दा हांव ताका म्हजो म्हुणूंक शकना. कित्याक तर हांव कुमारी माता म्हण लोकांक समजले जाल्यार लोक म्हज्या तोणांत शेण घालतले. म्हाका लोकांक तोण दाखोवंक जागो उरचो ना. ' कोण कोणाचो ? ते महाडेश्वर जोडपें नंदूचे कोणच नासुन सुध्दा ताणी ताका आवय बापाय परस चड माया लायिल्ली. आनी जल्म दिवपी आवय मात पयस रावन पळयताली. तिका ताजो हक्क नाशिल्लो.

आतां तें प्रेत थंयच्यान हालयिल्ले. थंयची गर्दीय [illegible] ते दिस इश्कोलाक सुटी दिल्ली. लता मंद पावलां घालीत[illegible] वतालें. तें काळजान रट्टालें. इतल्या म्हणसर ताका [illegible] माल्लो.

' तूं कोण म्हाका उलो मारपी ? लजय दिस[illegible] असल्या रस्त्यावेल्या मवाल्याक हांव कॅर करीना. खु[illegible] दुष्ट, नीच. ' लता संतापान पेटून उठील्लें. ' लता', तो[illegible] म्हज्या हाताल्यान चूकून घडला. हांवे खून करूंक [illegible] भुरग्याची, म्हजी न्हय. ' ' अवी तो भुरगो कोण तें [illegible] तुका ? तो तुजोच भुरगो. '

' ना ना लता कितें उलयता तूं हें ?'

' धा वर्सां पयलीची याद कर. अवी जेन्ना ह[illegible] खबर सांगूक आयिल्लें तेन्ना तुवे म्हाका कितें सल्लो दि[illegible] याद आसा तुका ? सारखी याद कर. अवि तेन्ना [illegible] म्हज्या पोटांत वाडपी बिज नष्ट करूंक लायिल्ले. [illegible] रोपटे तूवे आज तुज्याच हातान तोडून उडयलें. ' [illegible] सांगून लता थंयच्यान तूरतूरीत चलूंक लागलें. प[illegible] दुखां अविच्या दोळयांत भरील्लीं आनी तो लता गेल्ल्य[illegible] एकटक नदरेन पळयत रावलो.

' कुळागरा 'क आमचीं परबीं



मे.

अचयुत राणू शेणवी तळावलीकर

जनरल मर्चंट

मडगांव–गोंय.

फोन : २७१४

श्रावणांतली सोबीतकाय

– मनोहर पै. धुंगट

…चे बाराय म्हैने सैमाची वेग वेगळीं रूपां आमका दिसतात. …टीक केन्ना हांसैणारो, केन्ना रडैणारो, परीपरीनी तिचो …र करणारो असो काळाचो अेक भाग मळचार ऋतु. …र काडून उडौपी ऋतु आनी गीमाच्या तळतळाटा उपरांत …ड किरांव उदक घालपीय तोच.

…–आषाढात घडघडाट करूक येवन श्रावणान मोगान …भाद्रपद–आश्विन मेरेन धरेर्तक न्हाण घालता तो …चो ऋतु. ह्या पावसाळचा म्हैन्याच्या माळेंतलो म्हूर्तमणी …ावण. ताचे सोबीतकाय चोंयदिकानी फांकलेली आसता. … नटून थटून रावील्ल्यावरी दिसता. तिचें रंग आनी रूप …ान्सा जाय आनी जागें मन जाय. श्रावण म्हैनो सगळचा … आवडीचो. ताचे सोबीतकायेन बुल्लुसुन कवी शंकर …ापल्या म्होव्या आनी मेजिल्ल्या उतरानी सांगता,

पांचवी शेतां,
पांचवो वारो,
जळटचा जिणेक
फुटला झरो....

श्रावण म्हळचार पांचव्याचार रंगाचे व्हड थाटान मांडिलें … आषाढांतल्या उटंगाराच्या पावसांत जमिनींत जैं जैं बीं …त थैय थैय तें लसलसुन रुजून वैर येता. ह्या रुज…ी पांचव्या हरयाळीन आणि चरवान धर्तरेचो इल्लोय …नासताना लिपून वता. तळयेचेर आनी जैं उदक सांचला …कोंडाचेर विलोदासारखो शेळो येता. दोंगुल्ल्योसुद्धां आतां …सनात. गिमांत कुपां नाशिल्ल्यान मळब वैर वैर गेलाशें …नी दोंगुल्ल्यो सकयल दिसतात. श्रावणान मळब दोंगुल्ल्यांक …क येताशें दिसता.

…णांत कितले तरेच्यो वनस्पती बी किल्लुन येता हाचो … ह्या पांचव्याचार पानाच्या मंडळात शेरवडाचें धवें … आपणाले वेगळेंपण दाखौन रावता. कांयकडेन ही …त्री पुंजावन आयतारा सूर्यनारायणाची पूजा करपाची …. ह्या पत्रेन शेरवडाचें पान मुद्दाम पुंजावन हाडटाले अशी म्हाका याद आसा. पुराणात श्रावणांतल्या सूर्याकच ‘ पर्जन्य ’ अशें नांव आसा. पर्जन्यान दिल्ली पत्री घेवन तीच ताका ओंपून ताची पूजा करप हातुंत उपार अर्थाचे रूपक दिसता.

वसंत ऋतु हो फुलांचो राजा अशें समजतात. पणुन श्रावणांत येतात तीं फुलां सोबीतकायेन मन धादोस करतात. हळडुवी सोनचाफी, धव्यो फुल्ल जायोजुयो, सायली सोनटाके बी फुलां येवंक लागतात. पावसान मळभांतल्यान नाच जाल्लो हळडुवो भांगराचो रंग सोनचांफ्याच्या रूपान पृथ्वीर येता अशें कोणें म्हळां तें सामकें खरें. ‘ शून्य शृंगारतें होऊनीया हळडुवें ’ हें सोनचाफ्याच्या राशीक आनी श्रावणांतल्या ओताकुय लागता अशें म्हाका दिसता. धव्योफुल्ल जायो तर श्रावणांतली खाशेलीं फुलां. कवी शंकर रामाणी म्हण्टा–

सगळचाच
श्रावण म्हयन्याक
म्हाड्डोळच्या
जांयाचो वास आसा.

कवीन केल्लें हें श्रावणाचें मुर्तावण म्हाका खऱ्यांनीच रूपाळें दिसता. ह्या जायाच्या वासाक लागुन ज्ञानेश्वराच्या नेवाश्यांतली म्हाळसासुद्धां म्हाड्डोळा येवन रावल्या. हीं आनंद दिवपी फुलां निर्माण केल्या बद्दल देवाचे उपकार मानपाखातीर गोंयच्या देवळानी जायांची पूजा बांदपाची चाल पडल्या आसूं ये. सगळी गर्भ कुड आनी मंडप जायांच्या घमघमान भरून वता आनी कृतार्थ अंतस्करणात देवाची आरती करतात.

पारिजातकाक दोन चार म्हैने फुलां येना त्या तेपार तो काशीयात्रेक गेला अशें आमची आजी म्हण्टाली. पणुन सोंपल्या श्रावणान काशीयात्रेक गेल्लो पारिजातक मोतया पोंवळ्याची रास घेवन येता. आनी पोरसान सकाळी फुडें ती शिंपडुन दवरता. त्या राशीवैल्यानुच भाद्रपद भितर सरता म्हळचार जाता.

अश्या हया श्रावणांतल्या पावसाचीय वेगळीच मजा आसता. आषाढांतल्या पावसाक, आषाढ पांवळी अशें म्हण्टात. कित्याक कोण जाणा नव्या व्हंकलेक आषाढ पांवळी कुळारा काडची पडटाली. आषाढ पांवळेन मांवाचे तोंड तिणे पळोंवचे न्हय असो संकेत

आशिल्लो ! आषाढातली आषाढ पांवळी जाल्यार श्रावणांतल्यो त्यो श्रावणसरी; रेसमा सारख्यो. येता आनी वता. दडक आयलीच जाल्यार थोडो वेळ.

मळबांतल्या कुपांचीय ह्या वेळार बरीच वेगवेगळी रंगरूपा पळोंक मेळता. जांभळो किरमुजी तांबडोसार अशे रंग मळबार दिसता. ह्या मळबाच्या रंगाचो आनी दरयांतल्या नृत्याचो कितें संबध आसता तें हांव नकळ पणून मळबाचो रंग पळौन खैंचें नुस्ते रापणीक पडटलें तें ज्यूस्त सांगणारे लोक आसात.

श्रावणांतल्या कुपांचे आनी आपल्या प्रियतमेच्या केसांचे नातें आसा अशे शायराक दिसता. तो म्हण्टा,

सावन तेरे जुल्फोसे घटा माँगके लया
बिजली ने चुराई है तडप तेरी नजरसे

रातच्या मळबाचें बारकायेन निरीक्षण करपी लोक सांगतात गरूडाच्या आकृतीचो अेक नकेत्रांचो जमो दिसता तांतुत 'श्रवण' नांवाचो अेक तारो आसता ताकाच लागुन श्रावण हें म्हैन्याचें नांव पडलें कोण जाणा !

दरयाय ह्या म्हैन्यांत आपणालें काळें रुप सोडून दिवन पांचव्या रंगाच्या प्रदर्शनांत येवन मेळता. दरयाच्या फेणेराक एक सुक्षीम असो पांचवो रंग येता. सुता पुनवे उपरांत दरया मात्सो शांत जाता. समुद्राची पूजाकरून ताका नाल्ल अर्पण करपाची चाल आसा. असो हो सोबीत म्हैनो हिंदू धर्मान अत्यंत पवित्र मानतात. ह्या महिन्याच्या दर दिसा कांय ना कांय धर्मकृत्य करतात. श्रीकृष्णाचो जल्म ह्याच म्हैन्याच्या वद्य अष्टमीक व्हड प्रेमान सगळेकडेन साजरो करतात. नागपंचम, सुता पुनव, जन्माष्टमी बी सणासुदीक लागून ह्या म्हैन्याच्या सोबीतकायेन आनीकुय भर पडल्या म्हळ्यार जाता.

श्रावणाची सोबीतकायेची कथा सांगत तितली थ[illegible] मुंबैसारख्या शारांत पोटा फाटल्यान येवन पडिल्यां[illegible] म्हळ्यार गेल्या दिसांची याद अशें दिसूंक फाव. शार[illegible] दगदगीची जाल्या. हांगाच्या जीणेची उद्दीष्टांच बदलल[illegible] दगदगीच्या आनी माकनासारख्या चलील्या जीणेंतुय श्र[illegible] सुखदिणे जातात. शारांतल्या मनश्याक लेगीत श्राव[illegible] धादोस दिल्याबगर रावना. केन्ना कॉंक्रीटच्या जंगलात [illegible] देगेक आशिल्या पिंपळासारख्या झाडाच्या पानांतल्यान [illegible] गुढी दिसता केन्ना बिल्डींगेच्या वण्टीतल्या अचळय भायर[illegible] वडाच्या रोपटयाचेर नदर वता. सकाळच्या पारा शि[illegible] सारख्या मैदानाचेर पांचवोचार तणाचो गालीचो दिसता. [illegible] ऑफिसातल्यान घरा परतताना मळबाचे रंग दोळे[illegible] सदाच्या कामान आसताना, श्रावणातल्यो सरी ताच्य[illegible] काळाच्या गूढ कवनाचे सूर भरून सोडता. फाटल्या [illegible] काणयो ताका नुलयत सांगता.

शारांतलो मनीस निर्सगापासून पैस गेलो जाल्या[illegible] ताची फाट सोडीना.

सांजेवेळाचेर भोंवक गेल्ल्या वेळार ओल्या निळचा [illegible] सूर्याचे सात रंगानी रंगैलो रामाचो बाण पळोवपाची [illegible] लागता. आनी रात लागी येता तशी पैशिल्या झा[illegible] काजुल्याची जोत दिसता. आनी त्या जोतीच्या उजवाडा[illegible] धर्तरेर पावली मारता.

(आकाशवाणी– मुंबयच्या बरेपणान)

✱ कोंकणी भाशेक उजळ फुडार आंवडेतात ✱



भोलानाथ सॉ मिल्स

निरंकाल रोड,

फोंडें–गोंय

फोन : २ ९ १ (घर)
१ ५ ९ (ऑफीस)

जाली

— अना म्हांबरो

लेखक संमेलन

वल भारतीय कोंकणी लेखक संमेलनाचें आठवें अधिवेशन
वलता आसताना कांय विचार मनांत येतात : कोंकणी
रेंच मुखार वेता काय आमचे आमीच आमकां व्हड
जेन्ना आमी अेक पुस्तक बरें म्हणटांत तेन्ना कसाक
डो धरतात काय ?

गीची चळवळ ही गोंयकार क्रिस्तांवांक गोंयच्या हिंदूंची
नायल्या लोकांक गोंयकारांची बी दिसना मुं ? गोंय हें
मूळपीठ म्हणटांम्हणटांच ही चळवळ मूळपिठा पुरतीच
रना मूं ?

णी साहित्य कोणाच्या हातांत पडटा, तें कोण वाचतात
प्यांच्या काळजांत तांतलें कितलें अुरता हाचो कोण
ला काय ? गोंयचें साहित्य गोंयाभायर कितले लोक
ानी गोंयाभायलें साहित्य गोंयकार कितलें वाचतात ?
त्य क्रिस्तांव कितलें वाचतात आनी क्रिस्तांवांचें साहित्य
लें वाचतात ? भारतांतल्या वेगवेगळचा वाठारांतल्या
ल्यांक 'आमी अेकमेकांचे भाव' अशें मनापसून दिसता

चीं तियात्रां/नाटकां कारवार, मंगळूर, केरळच्या
वर अेके माचयेर केन्ना येवं येतीत ? तशीं तीं आयलीं
ांक ती मानवत ?

शेश आनी व्याकरणां सध्या तयार जातात तांचो सगल्या
बरप्यांक जाय तसो अुपेग जातलो काय ?
क संमेलन ह्या गजालीचेर येवजीत काय ?

दामोदर मावजो

कोंकणी लेखक संमेलनाच्या आठव्या अधिवेशनाचो अध्यक्ष दामोदर मावजो हो अेक अपुर्बायेचो मनीस. कसलीय गजाल सांगताना तो सदां हांसता... हांसतां हांसतांच गजाल सांगता आनी तागेले तो हांसो सदां अपुर्बायेचो आसता. मदीं तागेल्या दोळ्यांचेर संकट आयिल्लें. तागेलें ऑपरेशन जाल्लें. त्यावेळार हॉस्पिटलांत जे लोक तागेले खबरेक येतांले तांकांय तो हांसत गजाली सांगतालो.

मावजो हो अेक हाडाचो कथाकार. नुस्तें खावपी लोक जशे नुस्त्याचेर अुलयतात तसो मावजो कथेचेर अुलयता. कोणाचीय कथा ताका बरी लागली जाल्यार ती बरी लागली म्हणटा; बरी लागली ना जाल्यार बरी लागली ना म्हणटा. ('ती पोंवशेल्ली ' बी मात म्हणना.)

जे लोक रूचिन जेवण जेवतात तांची अुलोवपाची अेक तरा आसता. अमकें-अमकें- भितर-ज्युस्त- पडले-म्हणून-ही-अुडुमेथी-बरी-लागता बी म्हणपाची तांची चाल आसता. हेच परीन, मावज्याक कथा बरी लागली म्हळचार कितें तें बारीकसाणेन सांगपाची संवय आसा.

हरशीं, आपल्या काळार मावजो आपल्या कथांक शेंवटाळच्यां-मुडुशांवरीच लेखतालो जातलो. नाजाल्यार तो आपल्या कथासंग्रहाक 'गांथन ' म्हुण बी नांव कित्याक दितलो आसलो ?

मावजो हो हाडाचो कथाकार अशें हांवें म्हळें ताचें अेक कारण म्हळचार तो दुसरें कितेंय बरयत-लेख बी-जाल्यार ते कथेवरीच बरयता. ताणें आतांमेरेन जे लेख बरयल्यात ते तो तुकाराम शेटीक धाडीत जाल्यार तो (म्हळचार तुकाराम) आपल्या नेमाळ्यांत 'कथा-लेख ' म्हुण छापतालो. येशवंत पालेकाराक हे लेख धाडल्यार ते तो **कोंकण भारतींत** छापचे पयलें तांचो शेवट ' कथेच्या तंत्रान बसना ' म्हुण बदलतलो.

अेका अमेरिकन बरप्यान म्हळां आपले दर अेके कादंबरेची सुरूवात कथेंत जाल्या. अेकाद्री कथा ५०-६० पानांमुखार पावली म्हणटकूच आपूण तिका कादंबरी म्हणटां. तितल्या पानांभितर अुल्लो जाल्यार आपूण तिका कथा म्हणटां. मावज्याच्या 'कार्मेलिना'चें अशेंच कितेंशें जालां जावंये देखून, ती वाचतकूच वाचपीय गोंदळांत पडटात जावंये. (म्हज्या हिसपान, साहित्य अकादमीन 'कार्मेलिनाक ' पुरस्कार दितना तिका **कादंबरी** लेखल्या, जाल्यार अकादमीच्या नेमाळयांत (Indian Literature Nov/Dec 1983) १९८२ वर्साच्या कोंकणी साहित्याचो नियाळ करताना मनोहरबाब सरदेसायान तिका **दीर्घकथा** (Long Short Story) म्हळां.

हांगा लक्ष्मणराव सरदेसायांनी अेकेकडेन मावज्याल्या कथांच्या आकाराविशीं कितें म्हळेलें ताचो म्हाका अुगडास जाता. लक्ष्मणराव आपल्या 'कथाशिल्पां'त म्हणतात : ' दामोदराल्यो कथा आकारान. म्हय मोटव्यो, म्हय मोटचो अश्यो. हेर कोंकणी कथांच्या मानान

मात तांचो विस्तार मोटोच म्हूणूंक जाय. कित्याकु, ताची खंयचीच कथा धा पानां सकयल ना.'

कोंकणींतले हेर बरपी आनी मावजो हांचेभितर अंतर आसा. हेर चडशे बरपी शिविसो करतात (नाजाल्यार कांयच करिनात), जाल्लार मावजो वेपार करता. हेर बरपी खंयतरी फातर मारतात तसो मावजोय मारता. हेरांचे फातर जाय थंय पडनात, मावज्याचो पडटा. असोच अेक ताणे फातर माल्लो आनी मावजो मिडल-अिस्टाक पावलो.

मावज्यालें अध्यक्षपदावेल्यान केल्लें भाशण ताचे कथेवरीच आयकुपासारकें आसतलें आनी तें तो सद्चेवरीच हांसत वाचतलो हातूंत दुबाव ना.

बर्ट्रांड रसेल

अेन्काबण्टर (Encounter) ह्या ब्रिटीश नेमाळ्याच्या हालींच्या अेका अंकांत प्रो. सिडने हूक ह्या अमेरिकन प्रोफसोरान बर्ट्रांड रसेलाच्यो कांय खबरो सांगल्यात. आपल्या ... रसेलाचे बुद्धीची खूब तोखणाय केल्या. तात्वीक वादी... हात धरपी कोण नासले अशें म्हळां. पुण मनीस म्हूण... वायट प्रवृत्तीचो आसलो तेंय ताणे सांगलां.

हो अेक व्हड विचारवंत केन्नाकेन्नाय आपली... विकतालो ताच्योय कांय खबरो हुकाच्या लेखांत आसात... अेका प्रोफसोराचो निरोपाचो दबाजो आसलो. त्या... रसेल मुखेल पावणो म्हूण आसचो अशें दिसलें. र... आफोवणो धाडलो तेन्ना ताणे म्हळें मुखेल पावणो जा... म्हाका त्या प्रोफसोराचेर भाशण करचें पडटलें– ताचे वि... पडटले. आनी तशें भाशग करपासारकें आपणाक कांय का... आपूण ताका वळखना. उपरांत रसेलाक दबाज्याच्या जा... भाशण केल्यार ५० डॉलर्स दितां म्हळें आनी तो तें भा... तयार जालो. पैशांची गजाल आयकनाफुडें रसेलान म्ह... म्हाका हे भाशण करपाक ५० कारणां मेळ्ळीं.'

Participate in Development and Progre...

The Economic Development Corporation of Goa Daman & Diu Limited offers you a pack... services and liberal financial incentives for setting up new projects and also for expansion, modern... and diversification of existing projects. Our professional staff will give all necessary guidance and a...nce for your venture, be it a tiny, small, medium or large scale project.

SERVICES OFFERED

* Entrepreneurship Devolopment Programmes.
* Project Identification Services.
* Plant Location Assistance.
* Post-Production Assistance.

FINANCIAL SCHEMES & INCENTIVES

* Term Loans for acqiring land, building, plant and ...nery.
* Composite Term Loan, Scheme for Artisans, Cra... and units in tiny sector, at concessional rates.
* Special schemes for educated unemployed. Techn... Electronics Units and Rehabilitation of sick units.
* IDBI Refinance and seed Capital Assistance.
* Incentives like 25% Capital Subsidy, Interest-free Sal... Loan etc.
* Equity participation and Merchant Banking Services.

For further details please contact :

Business Services Division,
Economic Development Corporation of Goa, Daman & Diu Limited,
1st/4th Floors, Trionora Apartments,
Near El-Dorado Theatre, PANAJI-GOA 403 001.
Tel : Panaji 4541 (5 lines)
Gram : EDCIN : Telex : 0194 304 EDC
Bombay Office :
404 Regent Chambers,
208 Nariman Point, Bombay 400 021 Tel : 235229, 2...

EDC

Development is our Middle Name

ांचे युनिव्हर्सिटीत प्रोफसोर म्हुण नांव गाजतालें आनी
ा ताका त्या पदात्वेल्यान काडून अुडोवचो वाद चलतालो.
र ग्लॅमर ह्या बायलांच्या नेमाळयांत ताचो अेक लेख
त्या लेखाचो माथाळो आसलो: 'अेकाद्या लग्न जाल्ल्या
मोगांत तुमी पडलीं जाल्यार किते करपाचें ? ' अेकेवटेन
ोरकेचो वाद गाजतालो. केस कोर्टांत असली. अशा वेळार
लेख अंसल्या नेमाळयांत यवंक जायनासालो अशें हुकाक
ो ताणे रसेलाक विचाल्लें, हो लेख तुवें ह्या वेळार कित्याक
?'

ान जाप दिली, 'म्हाका संपादकान पन्नास डॉलर्स दिले
ातीर.'

म्हणटा रसेलाच्यान लेक्चरां दिवन, पुस्तकांचे नियाळ
चेपरस कितलेशे पटीन चड पैशे जोडूं येताले. पुण तें
असलीं अवचितपणां तो करतालो.

क शॉक बसलो तो अुपरांत-जेन्ना ग्लॅमरांतके तो लेख
ो रसेलाचे बायलेन आनी रसेलान ५० डॉलर्सांखातीर
ताचेर घालपाची परवानगी हे समजतकूच.

बरपी रसेलाक अजिबात आवडनासलो ताच्या पुस्तकाक
' बरोवन रसेलान तागेल्ली भरपूर तुस्त केल्ली. कित्याक?
मेळ्ळे म्हणून.

रसेलान ज्यो गजाली केल्यो त्यो पैशांखातीर. सादारण अश तरेच्यो गजाली आमीय करतांत– लोकांचें बरेपण जोडपाखातीर.

आमच्यो ख़बरो

रामकृष्ण जुवारकारान आपल्या पुस्तकांत ('आमच्यो खबरो') ही जी खबर दिल्या तिचो खबरेंजाणाक खुबशेकडेन अणभव आयला जातलो :

'अेक फावट हांवें फोंडयां स्टॅण्डार वर्तमानपत्र विकतें घेतलें आनी बसींत हांव चडलें मात, म्हजेकडल्यान तें कोणेंतरी मागून घेतलें. ताणें वाचल्याअुपरांत ताचे कडल्यान दुसऱ्यान कोणेंतरी घेतलें आनी म्हाका म्हजें पत्र परतें पणजे स्टॅण्डार देंवताना मेळ्ळें. परतो हांव आगशीचे बसींत चडल्या अुप्रांत तें परतें कोणेंतरी मागून घेतलें आनी म्हाका तें निमण्या स्टॉपाचेर देंवता आसताना परतें मेळ्ळें.

बसींत प्रवास करतना अशे कोणतरी येवन वर्तमानपत्र मागून व्हरता नाजाल्यार मांडयेवेलें ओडटा आनी अशे नदरेन पळेता की तें दिना जाल्यार तें व्हड कुन्नाटेपण जावपाचें. बसीत कोणेंय वर्तमान-पत्राचेर नदर घाल्याबराबर तें ताका दिवंकूच जाय. तें वर्तमानपत्र विकतें घेतलां म्हुण तुजें जायत. पुण वाचपाक सगळयांचें.'



GOA TOURIST TRADE ACT

The Members of Travel Trade in Goa may be aware that Goa, Daman and Diu Registration of Tourist Trade Act, 1982 has come into force with effect from 1/4/1985.

Booklet giving details of the rules etc. are available with the Government Printing Press, Panaji Goa.

For any further information or details, members are requested kindly to contact the Directorate of Tourism, Government of Goa, Daman & Diu, Tourist Home, Patto, Panaji Goa, on any working day during office hours.

Tel : nos. 5533, 4757 and 5715.



– Alcoholic beverages have spelt medical and social hazards. The notion that the Usage of alcohol restored energy and strength of mind is, to say the least, a fallacy; it is spread by addicts anly. Besides, the belief about the ability of alcohol to cure or prevent diseases is equally unfounded. In fact, its usage under any circumstance may create serious individual, domestic, legal, medical and moral problems.

– Drug abuse can lead to ill-health and untimely death. Fight against Drug Addiction.

Issued by

Health Education Bureau

Directorate of Health Services

Panaji – Goa.

कोंकणी लेखिकांचें कथा साहित्य

— मेधा कुंदे

कणी साहित्यात बायलांचे बरवप संख्येचे नदरेन मात्शें खूबशा चलयांची नांवां नेमाळयांनी आनी रेडियोचेर ात. तांतले तांतूत कविता बरोवपी बायलांचो आंकडो गद्य बरोवप्यांपरस चड. कविता करपी चलयांत, नयना सूर्लकार, जयंती नायक, माया शेल्डेकार अशी नांवां घेवक मेळटात. गद्य साहित्यांतल्यो लेखिका ण्टुकूच पयलीं दोळयांमुखार अुबीं रावतात तीं हेमा ा नायक, मीना काकोडकार आनी जयमाला दणायत. कांय जाणांचीं नांवां घेवंक येतात पुण जांकां top अशें म्हणूं येता, अशीं ह्या चार बायलांचीं नांवां मुख्य-ा.

हजो लेख फकत अेका वाचप्याचे नदरेंतल्यान बरयला. नदरेंतल्यान न्हय हें वाचप्यांनी मतींत दवरचें.

च्या 'पसय' ह्या कथासंग्रहाचे प्रस्तावनेंत अुदय म्हळां, हेमा पयलीं सामाजिक मळावेलें वावूरपी आनी ाकार. ताच्यो कथा वाचतना हाजी खिणाखिणाक जाता. प्रत्येक कथेंत अेक अेक प्रस्न आसा, आनी तांतूतले लांचे आसात. समाजाच्या सगळ्या स्तरांवेल्या बायलांचे- चपी चलयेक धरून विधवा बायलांमेरेन सगळे प्रस्न ळळयात- समाजांत बायलेचें स्थान खंयचें? तिका ा सुधारिल्ल्या समाजात कितलें मोल आसा, कितली सा, प्रत्येक वटेन चिंतनाचें वजन पेलतना तिचें कशे , तिजेर जाल्लो अन्याय, भुरगीं, घोव आनी बायल चीय आसली तरीय बायलेच्या माथ्यार ताजो कसो - हाजेर बरयतना हेमा सामके तांच्या प्रस्नांकडेन ल्ले दिसता. सरळ, स्पश्ट शैलींतले ताचें बरोवप वाचतना आनी तांचे संवसार आमच्या दोळयांमुखार अुबे ामच्या शेजरा, गांवात, सगळेचकडेन हेमाल्या कथांतली प्रसंग आमका दिसतात.

ा आडवी तिडवी वाट काडीनास्तना हेमा सरळ कशे ापेकडेन वता- आनी ही ताणें दिल्ली जाप वाचप्याचे म्हळयार अेक घुस्पागोंदळ निर्मिता, विचार करूंक

ताच्या कथांनी सपना चितरायिल्लीं नात, तर भोंवतणी जें किदे घडटा ताचे अुतरांनी रंगयिल्ले वास्तववादी चित्र आसता. थंय कल्पनाचित्रांक जागो ना, सोबीत अुतरां नात, अलंकारीक भास ना- थंय आसा आयचे प्रस्न आनी आयचीच जाप, जे जापेची खऱ्यांनीच गरज आसा.

आमचे पैकी कितलेशाच बायलांच्या जिणेंत हांतूतले प्रस्न आयल्यात. तांतूतल्या बायलांचीं रुपां आमी आमच्यांतूच पळयल्यांत आसतली- पुण कितले जणानी हेमान सुचयिल्या जापाचेर विचार केला? कितले फावटी दाराभायर घाल्लें पावल समाजाचे लक्षमणरेशेचे यादीन हुंबऱ्याभितर घुस्पलां? कितल्याश्या विधवा बायलांनी कपलाक परतून लावपा खातिर अुघडिल्ल्या कुकुमा करंडाक घरच्या लोकांनी हात मारून कुकुम जमनी भरवण केला? हजारांतली अेक सोडली जाल्यार अुरिल्ल्या नवशे णव्याणव विधवांनी राती जागून काडल्यात आनी दीस जावांले नाजाल्यार भावांले घश्टे काडपांत साल्ल्यात- ताच्यो दोळयांतल्या दुकांनी तांच्या भुरग्यांक न्हाणयल्यात आनी सगळयांच्या वायट नदरेपसून आपणाले शील लिपोवपाक माथ्यार पदराचो आडस केला.— हे माल्या, 'पोरसूं परतून फुलता' हे कथेंत अेका विधवेच्या मनाचे सगळे भाव रंगयिल्ले आसात अेके वटेन घोवाच्या मरणाचें दूख आनी तें कुशीक सरचे पैलींच लोकांच्या कोडू अुतराचें दूख- खंयचें व्हड? हें सगळें सोंमूक नज जावन दुसरें लग्न जावपी कांचनाच्या निर्णयाचेर विचार करपाची गरज उप्रासता.

'कुकमा आदार' हातूत बेबदया घोवाक लागून संवसाराची लागिल्ली वाट आनी बायलेच्या मनाचो विचित्र अवतिकाय, तिचें कळवळें, भुरग्यांच्या शिक्षणाचे हाल- तांका कामाक लायतना तिच्या काळजाक पडिल्ले घाय आनी निमाणी घोवाक धावंडावपाचो घेतिल्लो निर्णय —

मोगांत फटवल्ल्या जेनियाच्या मनाचो प्रत्येक धागो अुसोवपांत हेमाची 'सुखाचो सुगुर्वो' ही कथा जितली यशस्वी जाल्या तितलीच आवयपणाक आशल्ली बायल रंगोवपात 'आवयपण- अेक सपन' ही कथा - आवयपणाक लागून अेक पतिव्रता वायट मार्गान वचपाचो विचार करता हें वाचतगीर अेके बायलमनशेच्या मनाचें दुसरेंच रूप आमच्या दोळयामुखार अुबें रावता.

हीरा स्टील कपाट, रिटा शिवपांची माक्नां,
डायनिंग–ड्रेसिंग टेबल, सोफा
हांचेखातीर फाकीवंत



मे.
विश्वनाथ कुरतरकर

युको बँकेसमकार,
मडगांव – गोंय

आर्युविम्याच्या कामाखातीर मेळात



श्री. वाय. पी. आर. देसाई

एल्. आय. सी. एजंट

मडगांव - गोंय

दादल्यांचे वासनेक लागून कितले संवसार अुबंत हे सांगपाची आनी गरजूच ना. हेमान होय प्रस्न हात 'पसय' कथा संग्रहांतल्यो– 'वासनेचो बळी' 'सुटका' सांवार' आनी '– दीस गेले' कथा ताणे ह्या प्रस्नाचे 'घाय पेकलो' कथेंत समाजाचे विचार अजूनय कितले सकल्ल्या पांवडयावेले आसात ते दाखोवन दितना हेम चलयांच्या ह्या प्रस्नाचेरय विचार केला म्हणपाचे कळ

कुळागराच्या गेल्ल्या कांय अंकांनीय हेमा बायलां बरयत आसा. लग्नापयलीचे सगळे छंद लग्न जात घोवाक आवडना म्हणून सोडपी चलयांचे मन पारखिलां– बायलांच्या मनाच्या कोनशा कोनशांनी भावना समाजामुखार हाड्पात हेमा यशस्वी जालां ना. घोवाच्या अिच्छेक लागून आपणाली सगळीं आशिल्ली कला काळजांत धांपून दवरून घोवाक जाय त 'घरची रीत' ह्या सोबीत नांवापोंदा मांय मांवान जाल्ल्या बंदनात बांदून घेतना आनी नव्या घराच्या चा नव्या भोंवतणांत पोरणे विसरपाचो येत्न करतना बायल जावपी त्रास अुतरांनी जगामुखार मांडपी हेमाक मळार बरो फुडार आसा हे हांवें वेगळे सांगपाची ग बायल ह्या नात्यान बायलांचे विचार आनी तांचे म बरे होलमला आसूंये आनी देखूनच जावये एखादे हे कथा आयच्या समाजाचो अेक अंक प्रस्न आनी आपले दिल्ली जाप जावन आसा.

ह्यो कथा फकत वाचपाच्यो आनी विसरपाच्य आमी ह्या प्रस्नाचेर आनी जापांचेर विचार करूंक तशें जालें जाल्यारच हेमाच्या बरवपाचे मोल जातले दिसता.

शीला केन्ना केन्नाय 'भार' सारकेली कथा बर

शीला ल्हान भुरग्यांकडेन आनी तांच्या प्रस्नाकडेन कोनशातल्यान पळयता–तांचे जाण्टया मनशांक न तें अचूक पारखिता, आनी तांचे प्रत्येक करणेक न्या यत्न करता. तांची मनां रंगयतना, तांचे व्यक्तिमत्व आवय बापायचो आनी भोंवतणच्या लोकांचो कसो वांटो शीला आपणाले कथेवरवी समाजामुखार दवरता आनी शटूकसाणेन कशे वागूक जाय हाजी नकळटा जाण दिता.

'विद्येच्यान तर' हे कथेसली प्रसादाची अुत बापायचे विचार अुक्तावन दाखयतात.

'खेळ' 'बेबी' 'मॅगी' ह्या कथांनी शीला मनांच्यो वेगळच्यो वेगळच्यो भावना, तांची दुख्खां जाण्टयांकडेन पळोवपाची नदर हाजे वाचप्यामुखार चित्र अुबें करता. खिणा खिणाक बदलपी चंचल अ विश्वांत रमपी भुरग्यांचे मन शिलान आपणाल्या कथां

ांच्या प्रस्नाकडेन पळोवपाची अेक नवी नदर समाजाक

ुरगेपण न्हय, धड तरणेपण न्हय अशा वयावेल्या नांनीय शीला मेकळेपणान वाचप्याक ताच्या ' अशीच ' आनी ' मोग ' ह्या कथां वाटया भोंवडावन हाडटा. राचो धड अर्थ न कळिल्ल्या तांच्या कल्पना शक्तीची आमकां आमच्या ते वेळाची याद दिवन वता.

भुरग्यांल्यो आनी कंवळ्या मनांच्या चलयांचे दुख तले रंगून वता तितलेंच बायलांची मोनी दुखांय ! कथेचे सूर, दादले कितलेशेच फावट बायलांच्या पणाल्या सुवार्थाकडेन कशे पळेतात, हाजें गीत गायतात ाचे सूर वाचतल्याक अेका वेगळ्याच तरेन धुस्पायतात ते नव्या व्हंकलेच्या दुखांत वाटेकरी करतात.

े आवय ' हे कथेतले चलयेच्या आवयक जावपी ताणे चितरायल्यात. लग्ना पैलीं चली कोणावांगडा ताचो कोणाचेर मोग ना मूं ? जाल्यार लग्न ागेर भुरगे जातले मूं ? ओगीच म्हूर्त काडून केल्ले ादचेना मूं ? अशे आपले आपणे निर्मिल्ले प्रस्न आनी न पिशांवरी धांवपी आवयचे मन शिलान मांडला.

ल्लें चित्र ' हे कथेंत कथाकार भोंवतणच्या संवसारा- ं पात्रां सोदता आनी रात दीस भोंवतना कशें जिवित जगता– कशी पात्रां निर्मिता आनी नाका ूनय अुडयता हें दाखयता.

सायेन भावविश्वांत रंगून वचून कथा फुलोवपी कवी केन्ना केन्ना ' घाय ' आनी ' स्राप ' ह्या सारकेल्योय ा, हिंस्त्र रूपाची पात्रा कथेच्या लक्ष्मण रेशेभितर न घालता– तेन्ना ताच्या बरोवपाच्या शैलीची ता.

शिलाच्या बरपावळी विशी बरोवप सोंपयतना दो. सायानी बरयिल्ल्या ताचे ' ओली सांज ' ह्या कथा स्तावनेंतले कांय वांटे हांगा दिल्याबगर म्हज्यान राव ्या कथांची अखेर काळजाक हुलपून वेता, मोपासा न्री हांच्या कथांवरीच कथा विणीत वेता हांतूत ...अुपाट करुणेन भलिल्ल्या नदरेन तें मनशांकडेन च्या अंतर्मनाचे पदर सोडयता, अंतरविश्व जागयता.

ीलाची कथा फक्कत अेक रांगोळीच न्हय तर ती ळीयल्लो संगीतातलो अक करुण राग–ओली सांजेभशेन

या संगीताचे सूर काडपी लेखिका अशी वळख मीनाच्या ला' ह्या कथासंग्रहाच्या फाटल्या पानार अुजवाडांवप्यान कणीं कथेंत आपणाली अशी खाशेली सुवात निर्मिल्ली ापणाल्या बरोवपाच्या खास शैलीन कथेंतल्या पात्रां-

गोंयांत तयार केल्लो 'कुटीर' आंगाचो शाबू



- नीम तेलापसून केल्लो हो शाबू आंग निवळ दवरता आनी चामडेची राखण करता.
- शाबू तयार करपाची ' सोप बेझ 'य आमी तयार करतात.

खादी आनी ग्रामोद्योग आयोगाची मान्यता आशिल्ली संस्था

ग्राम विकास मंडळ

सुरज, कुंडय (गोंय) ४०३११०

(फोन : ४८ म्हार्दोळ)

कडेन आनी प्रसंगांकडेन वाचप्याक अेकरूप करता. आमच्या भोंवतणच्या मनशाल्यो संवसारिक विवंचना, तांची सुखां दुखां, अुमेदी हावेस, तांचे सभाव आनी व्यक्तित्व मीना वेगळ्या वेगळ्या कोनांतल्यान चितरायता.

तागेल्या प्रत्येक कथेत अेक वेगळी रीत आसा, आगळीच रूच आसा, प्रत्येक कथा वेगळी पुण रुचीक ! खंयच गोड पदार्थाक साकर चड पडूंक ना म्हणून खंय तिखट पदार्थाक मिरसांग अुणे जावंक ना, अेक गोड, अेक तिखट, अेक आंबट पुण प्रत्येक कथा सुरबूस.

'दोंगर चंवल्ला' हे कथेतली काण्णांची आमट गोड रूच सगळ्या शारांतल्या लोकांक खेड्यांत आफयता अशे म्हळ्यार वांकडे जांवचेना, खेड्यांतल्या जिविताचे ताणं रंगयिल्ले चित्र आमकां नकळटा खेड्यांत व्हरून पावयता आनी भानूदासावांगडा चंवल्लेल्या दोंगरार अचळय भोंवडावन हाडटा.

'चीट येवंक ना' हांतुतलो पोस्टमन गांवातल्या लोकांकडेन कितलो अेकरूप जाल्लो आसता हें दाखयतना मीनाबाय जशें वास्तवचित्र दोळ्यांमुखार अुबें करता तितलेंच कथेच्या शेवटाक आवयचे धुवेच्या मोगान पिशे जाल्ले मन सारासार विचार कसो करता तेंय दाखयता.

'मास्तर, तुंये म्हाज्या चेड्याक इबाडलो, साम… अशे म्हणपी अमृते गरीबीक लागून मास्तराल्या ब… सैत वायट म्हणूक पावता तेन्ना ताच्या व्हडल्या … ताचीय काकुळट दिसले बगर रावना.

कोंकणीची वेगळी बोली अुलोवपी चार तरनाटे … जातात तेन्ना तांच्यो रंगल्ल्यो गजाली जिव्यो तट्टीत ज… मनार सादतात. मीना बाय त्या त्या पात्रांच्या भीसेतल… देखूनच जावंये अेखादे ताजी कथा खूब तेंपनेरेन मना… रावता.

'बापुय न्हय तो आमचो' हातुत भुरग्याचे … जिज्ञासेन भरील्ले मन मीनान आमच्या दोळ्यांमुखार अु… 'आवडू' कथेंतले, तरणेपणाच्या हुमऱ्यावेले दुष्पा … यादीनी घुस्पल्ले दाखयला.

'स्वीट ड्रीम्स' कथेंत तर पिराय वाडटगीच आंक… रडपी काळीज मीनान पितारला, तांच्या मनांतले आप… समजावपी विचार जितले ताणे प्रभावीपणान मांड… 'अपुरबायेंचे' ह्या कथेंत आवयच्या मनाचे धागे अुस… पोल शेताचे आनी लळे पांगळे कुशीचे ही म्हण स… म्हणपाची दाखोवन दिवपी ही कथा काळजाक हात घाला.

Rural Development Agency-Goa

Assists the weaker section population including Scheduled Castes/Scheduled Tribes with economic Schemes to bring them above the poverty line.

The Schemes include :

1) Providing irrigation facilities like wells and water pumps.
2) Supply of milch and work animals including sheds.
3) Supply of Fisheries Requisites like Nylon nets, Canoe, outboard Motors etc.
4) Imparting training to Rural youths both boys and girls of age 18-35 years in various trades for self-employment.
5) Assistance to Rural Artisans to improve their professions and enterring into new trade.

The Agency gives 33.1/3% limiting to Rs. 3000/- as subsidy per beneficiary and the balance by way of loan through Bank at low rate of interest.

For details, contact the Gram Sevak of your area or nearest Block Development Officer or Rural Development Agency, Panaji-Goa (PHONE No. : 4386)

ISSUED BY :

RURAL DEVELOPMENT AGENCY-GOA.

...ा पिला रे ' कथेंतलो रघलो समस्त भुरग्यांचो प्रतिनिधी ... तरी आवडटा म्हणून करपाची गजाल तो कशी सहज ...ा आनी जंय ताका खऱ्यांनीच भोग आसा तें तो कसो ...ळोवन भुरग्याचे सादें भोळे मन आमका जाणवता. ...ल्लो रघलो आनी भुरगे नाशिल्ली मावशी–पुण ...ल्या सुकण्याक खऱ्यांनीच घोंटेराची याद जायना ...णविकाय आमकाय जाता.

...ाय मनशाच्यो भावना रंगयतना जितले गुल्ल जाता ...नजातीची चिंतना रंगयतना ' वायस ', ' गोरवां ' ... वाचतना दिसले– तांचेबाबतीत आमी असो केन्ना ...क नाशिल्लो न्हय ?

...्या बरपावळीचेर बरयतना तागेल्या काणेकार ... याद केलीना जाल्यार सगळें बरोवपच अपुर्ण कशे ... कोंकणी'च्या दोन वर्सांच्या दिवाळी अंकांनी मीना- ...णेकार सोसायटीन सुर्वेगिराण आनी स्कायलॅब जशे ...ी याद जाल्यार म्हज्या ओंठार–म्हज्याच कित्याक ...ते वाचलाताच्याय बी–आजूय हांसो अुदेतलो आनी ...तंबोरा ब्रेक फॉर सांसण ' म्हणपी नम्बियाराच्या ...ंगपाचे म्हळचार ' व्हि रिमेम्बर काणेकार सोसायटी ...' म्हणचे अशें दिसता.

... वाक्यान सोपोवपाचें म्हळचार– ' मीनाच्यो कथा नकसूद भाशेंत कुशळ कलाकाराचे फिशालकायेन काळजाचे सतारीच्यो तारो हालोवन तांतुतल्यान जिणेच्या संगीताचे सूर भायर काडटात.

जयमालाक बरोवपाची भुरगेपणापासूनची आवड, कोंकणींत आनी मराठींत, कथांच्या सर्तीत ताणें जायती इनामा मेळयल्यांत– ताची मराठीतलीं ' अशी पाखरे येती ' ही कथा म्हाका अजूनय येवजता आनी ताणें चिमणेचे पिंतारीलले मन आनी सुकण्यांचो संवसार म्हज्या दोळ्यांत आजय दूकां अुबी करता. ही जाली मराठीची गजाल, कोंकणीकय जयमालान भरपूर दिला, आपणाले विचार, बुद्ध ताणें कथा ह्या माध्यमावरवीं अुक्तायल्या. तशें पळोवंक गेल्यार कथाकाराक जाय तें सगळें साहित्य जयमालाकडेन आसा, भायलो संवसार पळोवपाची नदर, भितल्लो संवसार पारखुपाचे मन आनी विचार अुक्ते करपाक फाव तें अुतर. ताच्या ' कवासो ' ह्या कथासंग्रहाच्या प्रस्तावनेंत दो. मनोहरराय सरदेसाय म्हणटात–शीलाबायच्या कथांत अुमाळो फुलता, मीना बायच्या कथांत भास चंवरता तर जयमालाच्या कथांत बुद्ध लिकलिकता.

समाजाच्या कितल्याशाच प्रस्नाक जापो फोडपाचो येत्न करता.

नोकरी करपी आवयांचो प्रस्न हो अेक आयच्या समाजाचो व्हडलो प्रस्न. नोकरी सोडूकय शकना आनी नोकरेक वचपय

With best compliments from :

SALGAOCAR ENGINEERS PVT. LTD;

Regd. Office : P. O. Box 171, Swatantrya Path

VASCO-DA-GAMA, 403 802

GOA-INDIA.

Grams : SALEQUIP   Phone : 2326

Offices at :

New Delhi ▣ **Bombay** ▣ **Bangalor & Dhanbad**

आपल्या दोन मुलांत तीन वर्षांचे अंतर ठेवा



निरोध



तांबी



गोळ्या



कोणतीहि पद्धत स्वीकारा

davp 84/225

ा अवस्थेंत घुस्मटिल्ली आवयजमाला वेवस्थित मांडल्या. ॅमाक ' जाप सोदपी खुब्शा आवयच्यान जयमालाल्या चार करूंक येता आनी मांय, मांवाक मात्शी समजून ांक दाखयली जाल्यार भुरग्यांचो फुडार बरो जातलो ो बाळगूं येता. -दवरील्ली चेडवा भुरग्यांची कशी वाट ाजेरय जयान बरोच अुजवाड घाला. आनी बारीकसाणेन ाज घरांघरानी हेंच चल्ला अशे दिसून येता. पैशे यांचो पेडुर जाल्लो फुडार आपणावचे परस आमी मांय येचे अुतर दिवन लागीं कित्याक करचे न्हय ?

ार जातीय लग्ना ही आयची गरज अशें म्हळ्यार कांय जावंचिना. पुण हे लक्षांत कोण घेता ? आनी वड्डून जेर भाशणा दिवपी तरनाटे सैत, आपणाचेर येतगीच, ाराण्याची रीत कशी मोडप, अशे म्हणून फाटी सरतात, न कोणय सल्लोच फुडें जाल्यार घरचे लोक ताका का करून सोडटात आनी सगळचांच्या मोगाक आशेल्ल्या ाक इत्से भायर वेगळेपण भोगूंक लायतात. -आपणाल्या द ' हे कथेंत जयमालान अशा आंतर जातीय लग्नान प्रस्न चितरायल्यात आनी आपले परीन तांका जापय काळजांतली माया निमाणी समाजाच्यो सगळ्यो म्हेरो, वर्सांनी कांय जायना, हुपपाक समर्थ आसता. हाजी य करून दिता.

ाजाच्या प्रस्नाचेर कथा बरयतना पुण खुब फावटी व्हांवताय बी आनी जेन्ना कथा अुपदेसाची पोटली जाता थेचे जिवंत मरण कशे दिसता, देखीक ताची पत्ररूपान ' जल्मगांठी ' कथेंतलो हुंड्याविरुद्धचो अुपदेस. तशे ल्यार ह्या प्रकारान बरयिल्ली ही कथा खऱ्यांनीच जाल्या पुण चवथ्या पत्रांतले कांय वांटे दुखी अिश्टीणीच्या घायार फूक मारपाची सोडून ओगीच वैलेवयर भाशण दिसतात आनी अख्खे कथेची सोबाच पेडुर जाल्लेवरी

बुद्धीचो अुजवाड पडूंकच जाय आशिल्लो पुण ताची अतिताय जावंक फावनाशिल्ली.

' आंकवार मोरी ' ही कथा बरोवपाची रीत तर खऱ्यांनीच ओडलायणी दिसलो. प्रत्येकाचे मतावरवीं कथा फुलत वेता तेन्ना जयमालाची बरोवपाचो शैली मन नकळटा ओडून घेता. सुनेन आंकवार मोरी म्हणटगीच दुखिल्ले सुमित्राबायचे अनवाळे आनी मन नकळटा आमचेकडल्यानय दुकांचो अभिशेक मागता आनी सूनेन तिका समजून घेवंक जाय आशिल्ली अशे दिसता.

' नागवणो ' ह्या कथेंतलो बाप्पा जयमालान जसो पेनान रंगयला तस्सो दोळमुखार अुबो जाता आनी मनाच्या पडद्यार आपणाचे चित्र सारके पोरणी ज्युदी, कुसके खोमीस घालून, जल्मांत शाबू लायनाशिल्ले म्हेळे पुडवे न्हेसून, पिंजकरे जोते आनी रंग गेल्ली लग्नाकडली तोपी घालून सारके अुबे करता आनी पश्चात्तापान हुलपून दुकां गळयता.

जयमालाल्या कांय कथांची निमाणची अुतरां काळजाक हात घालतात आनी मनशाच्या मनाचे वेगळे वेगळे भाव मनार सादयतात, शिकिल्ले सवरिल्ले भुरगे मनाचे दुबळेपण आनी बेठोच खेळ म्हणून केल्ले दुष्टपण जेन्ना कृतीनी दाखयतात तेन्ना जांचेर अन्याय जाला त्या पात्रांखातिर काळीज रडटा.

देखीक ' मामाली चली ' हांतुतली ही निमाणची अुतरां -अेकेवटेन नदर लावन तें बडबडूंक लागले, मदींच ताका खुब्ब हांसन दिसताले, मदींच तें व्हडान रडटाले गोंदळून गेल्या बापायच्या हाताक हिसडो मारून तें अुबें रावले आनी धालो म्हणत नाचूंक लागले.

' इल्लोशी सांगशी करून दिगा मामा
वेल्या राना सोंसो आसा, कासे वतलीं
सोश्याले मांस काडून मामा दितेली
आनी मामाले चली हाडून सून करतली '

लाब साबांव उषा सायकल प्रेस्टीज प्रीत निमा पंखे

सवाय आनी कपडे नितळ-निवळ धुता

घट आनी चालीक बरी अशी सायकल

घरच्या बायलांनी पसंत केल्लो प्रेशर कूकर

तरेक तरांचे गिमांत थंडसाण दिवपी

गोंयचे मुख्य वितरक : **मेसर्स अनंत नरसिंह नायक**

मडगांव

तशेंच 'नीट चलयली' हांतुतली हीं कांय अुतरां 'बाबो, म्हाज्या बाबो रे' जमनीर तकल्यो आपटीत सुंद्रे सुधी भायर गेल्ले आनी हे वटेन... हे वटेन त्याच वेळार विनू आपणाले आमिगां-बरोबर नेटान थेटरांत बसून पैजेचो सिनेमा पळेतालो....

... ताणे नोट चलयिल्ली पुण नॉट (गांठ) बशिल्ली मात बाबड्या सुंदऱ्याच्या गळ्याक...

'पाल' ह्या कथेचे निमाणे अेक वाक्य अख्खे कथेचो कसो सार सांगता तें पळयात –

– आडयावेली पाल चूकचूकत व्हडलेले रांदचेकुडींत पावली आनी वण्टीवेल्या पालीन धाकलेले रांदचे कुडीचो आधार घेतलो

'हुंवार' ह्या कथेत केल्ले हुंवारावे भयांकृत वर्णन' जांबावलेचो तांबडो गूंज चा कसो पाण्टो आमच्या नदरे मुखावेल्यान व्हांवयता – जाल्यार – 'वॉर्ड नं १६' मनशाच्या दुबळेपणाची जाणीव करून दिता. जाचेवाचून कोणाचेच पान हालनाशिल्ले तें निर्मल मरतगीच ताची कोणाकच याद जायना आनी जण अेकलो आपणाल्या पोटाची पुजा करपांत गुल्ल जाता ते पळोवन मनीस कितलो सकल्ल्या पांवड्यार आसा हाजी जाणविकाय जाता.

हात्याच्या वासान परमळीत जाल्ली अेक दुखेस्त कथा 'कवासो'– आपणालें आंकवार जिवित आनी आपणाक लागून मेल्ल्या बालमित्राची याद विसरून वचपाचो येत्न करपी रंजना– 'कवासो केन्ना सोंपलो अुल्लो तो हातो' अशें म्हणटा व[illegible] काळजाक हात घालता.

आपणाल्या घरगुती भाशेंत बरोवपी जयमा[illegible] शब्दचित्रानी मनाक भुलयता–

'लजे व्हंकलेच्या झाडाक चूकून लेगीत कोण[illegible] लागल्यार पुरो, तिजी पानां रोखडी धांपतात तशें, [illegible] लेगीत ताजी मान अुमथी जाताली.

अेक कथाकार म्हणून समाजाचे प्रश्न जाणून[illegible] मांडपांत जयमाला यशस्वी जालां हांतूत दुबाव ना[illegible] मात्सो येत्न केल्यार ह्याहुनय बरे बरोवप जयमाल[illegible] अशे दिसता.

ह्या चारय बायलांच्या बरपावळीवेलो हो [illegible] म्हाका अितलेच सांगन दिसता कि चौगांयली आपण[illegible] सुवात कोंकणीत आसा आनी अेकूच विशय दिवन [illegible] कथा बरोवक लायली आनी जर बरोवप्यांचो ना[illegible] छापल्यो तरीय वाचप्याक त्यो आपणाले शैलीन, [illegible] रंगांनी सांगतल्यो कि ही हेमाताईन बरयल्या, ही [illegible] तिसरी मीनाबायची आनी चौथी दोळे धांपून जयमाल[illegible]

सगळ्यांनी वाखाणलेली आमची नवी

स्कॉच टेरियर व्हिस्की

संवसारांतल्या खंयच्याय व्हिस्कीपरस बरी
अशी मान्यताय मेळिल्ली



RHEA DISTILLERIES

NUVEM - LSACETE - GOA.

ONLY THE BEST MAKE HIS[illegible]

HERSONS

(THE FIRST NAME IN SPRI

Herson is known for quality, Tha[illegible] reliability has been by making p[illegible] which meets The Sringent Standa[illegible] Original Equipment Automobile [illegible] facturers.

When You Need Springs Ask Fo[illegible] Hersons.

Hersons (India) Steel Industries

OFFICE :
Nandanvan Apartments,
Luis de Miranda Road,
Margao-Goa.

FACTORY :
Shed No. D2-[illegible]
St. Jose de Ara[illegible]
Margao Indust[illegible]
Estate,
Margao-Goa.

HERSONS Telex : 196-205
Phone : 2975, 3246

GOA SWINGS INTO ACTION UNDER THE DYNAMIC LEADERSHIP OF PRIME MINISTER SHRI RAJIV GANDHI

- Light to the poor-
- Agriculture economy revitalised-
- Welfare schemes for backward classes-
- A job in a family-
- House sites for Harijans/Girijans and other weaker sections-
- Assistance to youths for self employment under " Trysem "-
- Component plan for the upliftment of Harijans/Girijans, Dhangars, Gawdas, Kunbis, Velips declared as economically backward-
- Net work of sub-health Centres in Rural areas-
- Peoples transport - Kadamba Transport Corporation-
- Boost to industrial development-
- One industrial estate in each Taluka-
- Net work of ITIS-
- Encouragement to village and cottage industries-
- Self employment schemes for educated youths.

ISSUED BY :

The Department Of Information & Publicity,

GOVT. OF GOA, DAMAN AND DIU,
PANAJI-GOA.

Help Preserve The Cultural Heritace Visit

THE MUSEUM OF GOA, DAMAN AND DIU

- This is a multi - purpose Museum and intends to depict the culture of Goa.
- The Museum has at present the Galleries of Ancient History and Archaeology, Art & Craft, Anthropology and the Western Art.
- The total objects in possession of the Museum are more than five thousand.
- The Museum has set up an Audio-Visual unit and film shows of Historical and Arch importance are arranged.
- The Government has acquired ten thousand Sq· Mts. of land for Construction of the Complex which will also have an open air Connon Gallory.
- The Museum Complex will include new galleries of Agriculture, Forestry and Natural addition to the existing galleries·
- Being your Museum you can take an active part in enriching it by donating, Keeping, a selling your valuable collection of antiquities and art objects.

The Museum Of Goa Daman and Diu

1 st Floor, Ashirvad Building, St. Inez, Panaji–Goa,
PHONE : 6006

Issued by :

The Directorate of Archives, Archaeology Museum,

Rua de Ourem, PANAJI-GOA.

अ. भा. कोंकणी लेखक संमेलनाक आमची परबीं
आनी
कोंकणीच्या जैतिवंत फुडाराखातीर आंवडे

मॉडर्न सोप फॅक्टरी

म्हापशें-गोंय

फोन : २४२४

सगळ्या तरांचे, उंचयल्या दर्जाचे
शाबू तयार करपी फॅक्टरी.

KUTIR tends your skin tenderly

Neem is its main ingredient

It's from K.V.I.C. the pioneers of popular Neem products





Kutir
TOILET SOAP
Available at all Khadi Bhandars

K.V.I.C.
Promotes Rural Uplift



Who captured the magic when Zubin Mehta waved his musical wand?

Who enthralls the masses with the lilting voice of Lata Mangeshkar?

Who spreads the good word far and wide on Doordarshan's quiz shows?

Who makes the catchy jingles on AIR so much a part of our life?

Who supplies a complete range of professional audio/studio equipment from the finest names in the world?



CHAITRA-B ME 290

Meltron of course!

The one company that does everything. From manufacturing ultra-portable and console tape recorders to setting up full-fledged recording studios on a turnkey basis.

The one company that keeps the best of company: SONDOR, STUDER, REVOX, SENNHEISER, EMT-FRANZ. . .

Hear the voice of reason. Call Meltron for hi-quality professional equipment.

MELTRON

Audio-Visual Division.

When the medium is audio Meltron gets the message across.

Maharashtra Electronics Corporation Limited
Raheja Centre, 13th Floor,
214, Nariman Point,
Bombay 400 021.
Tel: 240538 Gram: MELTRON
Telex: 011-6817